मोगरें

DNKN
043
126
गोंय कोंकणी अकादेमी मोगाळ भेट
243, पाटो कॉलनी
पणजी - गोंय

मोगरें

पुर्तुगेज लेखक :
तोमाज रिबैर

कोंकणी अणकार :
श्रीनिवास शेणवी भोबे

कुळागर प्रकाशन

मोगरें

MOGAREM

❑

पुर्तुगेज लेखक – तोमाज रिबैर

कोंकणी अणकार : श्रीनिवास शेणवी भोबे

❑

पयली आवृत्ती : २००७

❑

उजवाडावपी :

सत्यवान कुंदे

कुळागर प्रकाशन

आर्के, मडगांव – गोंय ४०३ ६०१

❑

मुद्रक :

कस्तुरी प्रिंटर्स

ढवळी, फोंडा – गोंय.

❑

मोल : ३० रुपया

तोमाज रिबैर (१८३१–१९०१) पुर्तुगेज कवी, पत्रकार आनी राजकारणी : कोइंब्र विद्यापीठाची वकिलीची पदवी मेळटकीर वकिली सुरू केली. पुर्तुगालच्या लोकसभेचो सदस्य म्हूण जायते फावटीं निवडून आयलो. जायत्या सरकारांनी मंत्री म्हूण काम केलें. पुर्तुगालचो ब्राझिलांतलो पूर्णाधिकार मंत्री म्हूण काम केलें.

१८७० वर्सा गोंयांत 'सेक्रेतारियु जेराल' म्हूण नेमणूक जाली. फुडाराक पुर्तुगेजांच्या इंदियेंतल्या इतिहासाचें संशोधन करून नामना मेळयिल्ले – इंश्तितूत व्हाश्कु द गाम – ह्या संस्थेचो संस्थापक. पिरायेची तिशी हुंपनाफुडें रोकडोच 'आकादेमीय दश सियेंसियश' हे संस्थेचो सदस्य म्हूण निवड.

'अ देल्फीन दमाल', 'अ इंदियानो', 'सोंशक् पास्सवं', 'व्हेश्पेरश' ह्या कवितांच्या पुस्तकांचो आनी 'दों जायम' ह्या खंडकाव्याचो रचपी.

गोंयांत आसतना 'जॉर्नादश' ही प्रवासवर्णनां बरयली. 'तेझ्यासावन मांडवीमेरेन', 'एन्त्रिपाल्मेयरश' आनी 'एन्त्रि प्रिमोरिश' या पुस्तकाचो तांतूंत आसपाव जाता.

तांच्या जन्मशताब्दिनिमतान गोंय सरकारान १९३१ साला 'जॉर्नादश – एन्त्रि पाल्मेयरश' हें पुस्तक छापलें. तांतूंत 'मोगरें' ह्या ल्हा कादंबरीचोय आसपाव आसा.

ही उर्देतेकडली कथा. ही कथा म्हळ्यार मोगाळ दों कॉझ्मीन म्हाका दिल्ली एक भेट. तांतलो गरज नाशिल्लोमजकूर वगळपाची हांवें मेकळीक घेतल्या हें हांव कबूल करतां आनी तेखातीर क्षमा मागतां.

साहित्य विविधा

कोंकणी साहित्य आनी साहित्यिकांची वाचप्यांक तोंडवळख करून दिवची हो हेतू नदरेमुखार दवरून कुळागर प्रकाशनान 'साहित्य विविधा' हो उपक्रम सुरू केला. सादारणपणान वर्साक बारा पुस्तकां उजवाडावपाचें आमी थारायलां. जण एका साहित्यिकाच्या साहित्य कृतींचो अदमास वाचप्यांक मेळचो आनी ताजे साहित्यिक प्रवृत्तीची आनी प्रतिभेची तांकां कल्पना येवची हेखातीर हो उपक्रम आसतलो.

'बत्तीस ते ऐंशी पानांचे मर्यादे'त एक पुस्तक उजवाडायतले आनी पुस्तकाचे मोल २५ ते ३० रुपया मेरेन आसतलें. व्यापारी तत्वाचेर ही येवजण आमी चलोवचे नात. पोरन्या– नव्या लेखकांमदीं भेदूय करचे नात. ज्यांची पुस्तकां अजून उजवाडाक येवंक ना अशा गुणी लेखकाचें साहित्यय आमी उजवाडायतले.

वर्साच्या १२ पुस्तकांचो सेट वाचकाक २०० रुपयाक मेळटलो. पुण ते मोल आदीं भरचें पडटलें. लेखक, वाचक, समीक्षक हांणी हे येवजणेचो लाव घेवचो. २००६ वर्सा आनी हातलीं तीन पुस्तकां उजवाडायली. आतां २००७ वर्साची बाराय पुस्तका तयार जाल्यांत. तीं डिसेंबर २००७ मेरेन छापून तयार जातली. तपशीलाखातीर बरयात :

कुळागर प्रकाशन
पो. बॉ. नं. ७८
मडगांव, गोंय ४०३ ६०१

संपादकाची प्रस्तावना

एक वेगळेच तरेची कथा हांव उजवाडाक हाडूंक सोदतां. उदेंतेकडल्या देसांतल्या चालीरितींची ती एक रुपरेशाच म्हणूं येता. जे मुस्तींत आमचे धर्मप्रसारक, धर्माचे आनी मांयभुंयेचे निश्टावंत शिपाय, उदेंतेकडल्या देसांनी गेले आनी तांणी थंयच्या पुर्विल्ल्या लोकांची निबर जाल्लीं काळजां आपल्या मोगाच्या संदेसान जिखलीं ते मुस्तींत ही गजाल घडली.

पुर्तुगेजांली तारवां दर वर्सा लश्करांतले सैनीक आनी धर्मसंस्थेचे पाद्री अशे दोन तरांचे शिपाय घेवन हिंदुस्तानांतल्या बंदरांनी पावतालीं. ह्या शिपायांमदीं सर्त आशिल्ली, पूण दुस्मानकाय नाशिल्ली. संघीक एकचाराचें दर्शन घडोवपी तो एक सुखदिणो काळ आशिल्लो.

ह्या काळांत इजिप्तांतल्या आनी पर्शियन आखातांतल्या रस्त्यांक, युफ्रातिस न्हंयेचे देगेवयल्या शारांक आनी अरबस्तानांतल्या वाळवंटांतल्या काफिल्यांक आपल्या हातांतलो हिंदुस्तानाकडलो वेपार वगडावत वता हें पळोवचें पडलें. ह्या काळांत आफ्रिका खंडाच्या दक्षीण टोंकावयल्या ओबडधोबड, उजाड आनी भयांकृत अशा दोंगुल्ल्यांक दक्षीण दर्याची व्हडव्हड ल्हारां कापीत वचणारीं तारवां पळोवचीं पडलीं. भितर आशिल्ल्या शिपायांच्या, मिशनऱ्यांच्या, तोफखान्याच्या आनी अगणीत संपत्तीच्या भारान बाग येवन करकरणारी ही तारवां पळोवपाचें तांच्या नशिबांत आयलें.

ह्या काळांत कायरो, पाल्मिरा, बसरा आनी व्हेनीस ही शारां आपल्या बाजारपेठांतले किण्णसाणेक लागून थरथरतालीं. ह्या काळांत आपल्या एकसुऱ्या, क्रुर आनी चवताळलेल्या दर्याच्या गळ्यांत एकाद्र्या पोशिल्ल्या सुण्यावरी तारवांची पटो बांदिल्लो पळोवन अपमानीत जावन 'आदामाश्तोर' (आफ्रिका खंडाच्या दक्षीण टोंकार रावपी एक राक्षस) तिडकेन आइ्डटालो.

हिंदुस्तानांत दर्यविळेवयल्या धोलत्या माडांच्या भाटांतल्यान आमचे धाडशी आजेपणजे मायदेसांतल्यान दर वर्सा थंय येवपी तारवां दर्यावयल्या क्षितिजावर दिसनाफुडें तांकां येवकार दिताले. झूज आनी कीर्त हातूंत वांटो घेवपाक आयिल्ल्या नवागतांक आपलेमदीं सामावन घेताले. हे उमळशिकेचे भावकेंत वर्तमानाविशीं उपाट श्रद्धा आनी फुडाराविशीं

पुराय विस्वास आशिल्लो. आयज खूबकडेन श्रद्धा, विस्वास, मायदेसाविशींची उमळशीक आनी मोग म्हळ्यार हांश्याचो विशय जाला. तेजीश्ट तरणाट्यांनो, तुमकां जाय तितले जाणटेल्यांचे स्वप्नाळुपणाक हांसात. पूण म्हाका दिसता कीं तुमच्या नास्तीक तत्त्वगिन्यानान तुमीं कांयच करूंक पावचेनात. आनी एक वेळ करूंक पावल्यारय तें भव्य आनी चड काळ तिगपी अशें जावचेंना.

सैमान आमकां विचारांवांगडा मोग आनी बुद्दीवांगडा भावना दिल्यात. आमच्या कांय सभावीक शक्तींचो विकास जावंचो म्हूण दुसऱ्या सभावीक शक्तींचो त्याग करपाखातीर त्यो आमकां दिवंकनात. तशें केल्यार एक प्राणघातकी असमतोल निर्माण जावन मनीस जातीचेर अगणीत प्रलयांक तोंड दिवपाचो प्रसंग येवंयेता.

तुमच्या जायत्या मतांनी तथ्य आसा. पूण दुखदिण्या सपनांचो बळी जावन तुमीं भेश्टावन सोडपाइतल्या प्रमाणांत अतिशियोक्तीच्या नादाक लागल्यात.

मनशान बुद्द आनी तर्क हांच्या आदारान सोदून काडिल्ल्या नव्यानव्या सिध्दातांक तांची भावनीक उंची वाडोवपाखातीर तेंको दिवंक वावुरणारो एक नवो संप्रदाय निर्माण जातलो. कारण निमार्णे सैमच सदां जैतिवंत थारता. जेन्ना मूर्तिपुजेचे अवास्तव अवडंब माजपाची वा अज्ञाताच्या अंत वा पार नाशिल्ल्या मळार तत्त्वचिंतनाचे धुंदींत मनीस शेणून वचपाची भिरांत नासता तेन्नाच मनशाच्या व्हडव्हड जैतांचें युग उदेवंक पावता.

विचारांच्यो बेडयो तोडून उडयात! सामकें बराबर! पूण खबरदार! आमकां आदार दिवपी हातांक आमी बेडयो समजूंक जायना. वाट चलणाऱ्या मनशाचे हात कापून उडयल्यार तार्चें वजन उणे जावन तो बेगीन मुक्कामाक पावतलो असो विचार करप हें जशें पिशेपण, तशेंच आमच्या भावनांचो त्याग करप हेंय पिशेपणच!

'मोगरें' ह्या पुर्तुगेज कादंबरीचो
कोंकणी अणकार करपी

स्व. श्री. श्रीनिवास शेणवी भोबे

हांच्या उगडासाक तांचीच ही साहित्यकृती अर्पण.

मोगरें

(१)

१५४८ माना पुर्तुगेज सैनिकांनी दिवाक केल्ल्या व्हड पराक्रमाच्यो खबरो आयकून सुखावल्लो पूण वांगडाच आपलो पराक्रमी पूत दों. फेर्नांद– द– काश्त्रु हाका त्याच झुजांत आयिल्ल्या मर्णाची वायट खबर आयकून दु:खान पोखरिल्लो दों जुआंव द काश्त्रु, विसेरयचें पनामीनल्या आपल्या म्हालांत एकांतांत रडटालो.

कदेलार बशिल्लो थंय ताच्या दुकांनी भरिल्ल्या दोळ्यासामकार ते लडायेतलो एक भिरांकूळ प्रसंग उबो रावलो :

... दुस्मानांचेर उजो ओंकपी नाळी, भयाकृत मड्यांनी भरिल्ल्यो काळ्योकीट्ट वणटी खयनरी काळसार जाल्ले सैनिक हातांत पेट्टी दिवटी घेवन तांबड्योगुद जाल्ल्या नाळींलागसार दिसताले. भायले वटेन वणटीचे वयर चडपी सैनिकाकडेन अजापान पळेणारें लश्कर. उजेक नळाकडेन रखरखीत रेवेन भरिल्ल्यो वेळो आनी दक्षिणेक अंत नाशिल्लें दर्याचें उदक.

एका प्रचंड स्फोटाच्या गडगडाटावांगडा उप्राशिल्ल्या उजाचे आनी धुवराचे वावटळींत दिवाच्या आनी खंबायतच्या सैनिकांक दों फेर्नांद उंच मळबांत उडिल्लो दिसलो आनी दिसता म्हणसर नाच जालो.

एक पुर्तुगेज राष्ट्रध्वज वणटीवयल्या सगळ्यांत उंच सुवातेर फडफडलो. एका व्हड जैताच्या स्तोत्राच्या सुरांक दर्याची ल्हारां आनी वाळवंटातलें वारे साथ करपाक लागले...

विसरेयन बोल्सांतलो लेंस काडून आपले दोळे पुसले. उपरांत खंयच्याय मनशान विसेरेयक केन्नाच रडटा आसतना पळेलोना.

"ह्या वणटीच्या दरेका चिऱ्याचें मोल म्हूण म्हगेलो एकेक पूत हांव खोशयेन दितलो आसलों". अशें तो आपलें सांत्वन करूंक आयिल्ल्यांक सांगतालो.

हो खंबीर आनी पराक्रमी मनीस भितरले भितर रडटालो. उदेतेकडले लोक

ताचेकडेन व्हड आदरान आनी मोगान पळेताले आनी रस्त्यांची आनी मंदिरांनी ताचेखातीर मोगाचीं कवनां म्हणटाले.

(२)

दों फेर्नांद एक सुसंस्कृत आनी विनयशील सैनीक आशिल्लो. गोंयांत जरी तो थोडोच काळ उरलो तरीकय शुर आनी धाडशी म्हूण नामना मेळयल्ले तरणाटे ताचेकडेन आदरान पळेताले. अडाणी लोक तर ताका दैवत मानताले. अस्तंतेकडल्यान हालींच आयिल्ल्या सोबिवंत घोडेस्वारांमदलो एक चड सोबिवंत तरणाटो म्हूण ते ताचेकडेन बोट दाखयताले. सुंदर आनी ओड लावण्यो हिंदू बायलो आपल्या घरांतल्या आडोसाच्या जनेलांच्या जाळयांतल्यान ताचेकडेन मोगान पळेताल्यो आनी एकमेकांचेर दुबावान आनी दुस्वासान जळटाल्यो.

सूर्य मावळचे वेळार जेन्ना दर्यावयलें वारें मांडवी न्हंये–देगेवयल्यान व्हांवत व्हांवत म्हानगरीचे वंयेवयल्यान माडांनी आनी चिंचांनी घुंवतालें आनी खेळटालें तेन्ना हो देखणो तरणाटो विसेरेयचे पलासींतल्यान कोनशाक आशिल्ल्या एका ल्हानशा कांतयिल्ल्या दारांतल्यान भायर सरतालो. हें दार सांव कायतानाचे इगर्जेच्या मळासामकार आशिल्लें. ताचे अवशेश आयज लेगीत थंय दिश्टी पडटात. पात्रियार्काचे इगर्जेक (सॅ) उजवे कुशीक दवरून तो मिझेरिकॉर्दिचे प्रशस्त इमारतीकडल्यान वतालो. जंय सांव फ्रांसिश्क शावियेराचें भव्य थडगें बांदिल्लें आसा त्या बाँ जेझुच्या चौकाकडेन पावतकीर डावे कुशीक वळून तो शाराभायर वचपी रस्त्यावेल्यान कुंभारजुवेंचे तारिमेरेन वतालो. आयज लेगीत हे सुवातेर एके पोन्ने वणटीच्या अवशेशांमदीं एका दरवाट्याच्यो खुणो दिश्टी पडटात.

बाँ जुझेचे इगर्जेसावन कुंभारजुवेंच्या कानाळामेरेनचो रस्तो बरो आंखिल्लो आसा. पोरण्या शारांतल्या सगळ्या रस्त्यांभशेन होय रस्तो रूंद, सपाट आनी सरळ असो आसा. तो एका दाट रानांतल्यान वता. आंबो, माड, बाभुळ, चींच, काज, कोंडो हांचीं झाडां आनी ह्या झाडांभोंवतणी जाळयो विणपी पानवेली आनी सदाकाळ फुलांनी सजिल्ल्या हजार तरांच्यो वेली ह्या एकसुऱ्या रस्त्याक सोबा हाडटात. पूण आयज सवण्यांचो किलबिलाट लेगीत ह्या मेल्ल्या शारांतले मसण किण्णसाणेचो भंग करिना.

कानालाकडेन पावनाफुडें सैमाचें हांसतें रूप दिश्टी पडटा. थंय सवणीं गायतात, उदक चकचकता, व्हडीं वल्यांच्या नादार चलतात आनी खाऱ्या उदकांतल्या नुस्त्यांच्या भिऱ्यांक लागून मातिल्ल्या झाडांचेर बगळ्यांचे चोंबे दिश्टी पडटात.

सोळाव्या शतकांत हो रस्तो असो नाशिल्लो. ताच्या दोनय कुशींनी जळींमळीं

फुलझाडांच्यो बागो आनी रानां हांणी रेवडायल्लीं घरां आशिल्लीं, हाची गवाय हांगासरले अवशेश दितात. ह्या उदेंतेकडल्या स्वर्गांत रावपी लोक चडशे थळावे मूर्तिपुजकच आशिल्ले.

दावे वटेनच्या निमाणच्या घरांमदल्या एका घरांत मोगरें नांवाची एक चली रावताली. तिचे सुंदरकायेची किर्त आख्या मलबार किनाऱ्यार पाताळिल्ली. तिची पिराय पंद्रा वर्सांची आशिल्ली. ती पांच वर्सांची आसतना ज्या चल्याकडेन तिची सोयरीक जाल्ली ती ल्हानपणांतच आपल्या कुटुंबावांगडा मद्रासाक गेल्ली. थंयच्यान दर वर्सा आपूण फुडल्या वर्सा गोंयांत येता म्हूण तो सांगून धाडटालो. ताका लागून ताचें लग्न फुडें फुडें वतालें. इतले मजगतीं मोगरें वयांत येवन ताच्या आंगापांगांतल्यान ताचे सुंदरकायेचें दर्शन घडूंक लागलें.

एक दीस कर्मधर्मसंयोगान दों फेर्नांदान मोगऱ्याक पळेलें. ग्रीक पुराणांतली व्हिनस देवताच ताच्या रुपान धर्तरेर अवतरल्या अशें ताका दिसलें. एकाद्र्या रानांतल्या चित्रकाभशेन तें थंयचें पळून गेलें. पूण पांय भुंयेक दशिल्लेवरी तो थंयच येवजीत उरलो. त्या दिसा तो कुमारजुवेंच्या कालव्यामेरेन पावलोना.

ते रातीं ताच्या सपनांत ती सौंदर्यदेवता येत रावली. तिचे मेकळे सोडिल्ले मखमलीन काळे केंस जमनीवयल्यान ओडत वताले. तिचे काळेभोर दोळे एकाच वेळार उन्याचो हुलांप आनी रेममाची मोवसाण शिंपडायताले. तिच्या आंगार आशिल्ले काळे साडयेक लागून तिचो गोरो चेरो आनी गोरे हात उठून दिसताले. सकाळ जायनाफुडें हो सगळो एक भास आशिल्लो हें ताका कळून आयल्ले. सांजचो तो परत तेवटेन गेलो. पूण ताका जें जाय आशिल्लें तें ताका दिसलेंना. कुंभारजुवेंचे न्हंयेंत तो न्हालो. तो उदकांत आसतनाच रात पडली. पयलेच फावट उदेंतेकडल्यो राती म्हळ्यार कितें हाची ताका जाण आयली. कितलीं नक्षत्रां! कितलो परमळ!

चंद्र निकतोच क्षितिजार उदेला. मळब आनी धर्तरी हांचेमदलो काळोख विरळ विरळ जायत चलला. मळबाचें पारदर्शकतायेक मंदसाण हाडणारो एक रुपेरी कणांचो पड्डो पातळावत रावला. अशा वेळार एका दोंगरार चडात आनी सांगात मळब खंय सोंपता आनी धर्तरी खंय सुरू जाता. नक्षत्रां खंयचीं आनी काजले खंयचे.

हिंसक जनावरांचो मोग समजूं येता; पूण जल्मजात प्रवृत्तीक लागून तांचेमदीं उप्रासणारें क्रौर्य मात समजूंक येना.

जेन्ना हो तरणाटो घोडेस्वार परततालो तेन्ना ते हिंदु वस्तीतल्या घरांच्या जनेलांतल्यान भायर उजवाड दिसतालो.

तो थांबलो. रस्त्याकुशीक आशिल्ल्या कोंडयांच्या झाडांमदल्यान कोणयतरी धांवक

लागिल्ल्यान पानांची सळसळ आयकूंक आयली. कोण आशिल्लो हो धांवपी? एकाद्रो सोरोप? एकाद्रें कामेरें? काय ताचेर भूल घाल्ली ती सुंदर चली?

सकयल्या जनेलांमदल्या एका जनेलाच्या आरशांतल्यान मोगऱ्याची कांतयिल्ली सावळी एक खीणभर दिसली आनी नाच जाली.

(३)

एकेक करून पेटयल्ल्या दिव्यांचो उजवाड त्या ओडलावण्या घराच्या जनेलांतल्यान भायर दिसूंक लागलो. तकलेक रूमाल रेवडायल्ले सावळ्या रंगाचे खुबशे दादले बागेंत सगळेकडेन भोंवूंक लागले. फुलांच्या परमळान आकर्शीत जाल्ले काजुल्यांचे चोंबे झाडांच्या आनी वेलींच्या पानांमदीं लिकलिकूंक लागले. घराच्या म्हालांतल्यान गायनाचे सुरेल आनी मंद सूर आयकूंक येवंक लागले. पूण दों फेर्नांद आनी तें घर हांचेमदीं खूब अंतर आशिल्ल्यान ते नक्की खंयच्या म्हालांतल्यान येतात तें ताका समजनाशिल्लें.

मोगान भारावन गेल्ल्या त्या तरणाट्याक आपूण एका खर उजवाडान दिपावन गेलां आनी जादुटोण्याच्या प्रभावान उबो आशिल्ले सुवातेरच दसून उरलां अशें दिसपाक लागलें. तेच प्रमाण त्या सुरांतल्यान केन्नाकेन्ना आवयन म्हणिल्ल्या आल्लयेंतली म्होरपिशी माया जाल्यार केन्नाकेन्ना बेभान प्रेमिकेन आपल्या प्रेमिकाक जाणोवन दिल्ल्या गुपितांची ओडलावणी थरथरसाण ताका जाणवताली. हीं गुपितां उतरांपरस उस्वासांनीच चड करून परगट जातालीं. एकाद्रे सुखदिणे दुगदुगीत रातीं एके शांत तळयेदेगेवयल्या एकांताच्या वेळार हीं गुपितां उस्वासांपरसय कुडीचो थरथर आनी बेभानपण हांणींच चड करून उक्तीं जातालीं.

बागेंतल्यान गूढ आनी मोन्यो सावळ्यो एकामेकांक तेंकत राविल्ल्यो अशें ताका दिसतालें. रस्त्यादेगेक आशिल्ल्या ज्या वेलींच्यो फांदयो आपणें हातांत धरल्यात त्या वेलींच्या पानांच्या जाळ्यांमदल्यान ते सोबिवंत हिंदू चलयेची आकृती आपलेवटेन पळोवन मोन्यानी सुचवण्यो करता असो ताका भास जातालो.

हांतूंत सत्यापरस भासच चड आशिल्लो. देखाव्यापरस भावनांचो खेळच चड आशिल्लो. तीव्र इत्सा आनी स्वप्नाळू मोग हांणी रेखाटिल्लें हें स्वप्न धांपिल्ल्या दोळ्यांकच दिश्टी पडटालें. उगड्या दोळ्यांक तें दिशिल्लें जाल्यार पळेतल्याचें काळीजय हालोवन सोडपाचें. तें सत्य आशिल्लें जाल्यार इतलें अस्पश्ट दिसचें नाशिल्लें.

कुडीक चडिल्ल्या जोराक लागून ताचें काळीज धडधडूंक लागलें. उत्कंठेन ताका घुंवळ आयिल्लेवरी जालें. ज्या कोंड्यां आडोसाक रावून तो हो गूढ देखावो पळेत

रावल्लो त्या कोंड्यांच्या फांदयांक हातांनी घट्ट धरून ताणें आपणाक सावरलो. त्या कोंड्यांच्या थरथरावयल्यान आपणाक कांपरें भरलां हें ताका होलमलें. ती हिंदू सुंदरी आपले सामकार इतली लागी उबी आसा की तिज्या उस्वासांनी आपलें तोंड भिजून आपणाक एके तरेची नशा चडल्या अशें तो सोपूत लेगीत घेवन सांगतलो आसलो.

पयशिल्ल्यान आयकूंक येणारे गायनाचे सुरेल सूर, चांदण्याचो शितळ उजवाड, फुलांचो उत्तेजक परमळ, काजुल्यांचो मंद लिकलिकाट, हवेतली सुखदिणी दुगदुगसाण ताच्या तोंडाक नाजुकसाणेन खातखुतल्यो करणारी पानवेलीची पानां आनी भोंवतणचो सगळोच धूंद वाटार ताका पिसायतालो.

एकांडेंच उरिल्ल्या त्या कोंड्याभाटांत काळोख आनी किण्णसाण पाताळिल्ल्यान ते भयानक दिसतालें आनी ताचो ठाव लागनाशिल्लो, तरी लेगीत एके जबरदस्त भुलीचे मुवादीन जाल्लेभशेन ताका दोन काळेभोर आनी नक्षत्रांपरसय लकलकीत अशे दोळे आपणाकडेन टक लावन पळेतात आनी मस्कतच्या पोंवळ्यांपरसय तांबडेगुंज आनी दवापरसय ओलसार अशे दोन ओंठ आपल्या मंद स्मितान आपणाक आपयतात अशें ताका दिसलें.

"अशें घडूंकच शकना!" एकाद्र्या न्हिदसुऱ्या मनशावरी ताणें आपणाकच उद्देशून म्हळें.

एकाद्रो प्रेमीक आपले प्रेमिकेच्या कानांत पुटपुटता तितल्या ल्हव आवाजांत ताणें म्हळें :

"म्हाका बांदून दवरणारी सुंदरी जर तूं आसशीत जाल्यार धांवूं नाका. म्हजेर पुराय विस्वास दवर. हांव कोण हें तुका कळत जाल्यार तुका म्हजो इल्लोपसून दुबाव येवचो नाशिल्लो."

तो वोगी रावलो. मोन्यानी आयकत रावलो... कसलोच आवाज ताच्या कानार पडलोना. कसलीच हालचाल जाल्ली दिसलीना.

ताचे पिरायेक सभावीक अशें निश्पाप हांशें ताच्या तोंडार झळकलें. इतले म्हणसर उदेंतेकडल्या सवकळीच्या विड्याच्या वासाचे सुगंधीत उस्वास आपल्या तोंडार परत शिंपडत राविल्ल्यान आपूण घुसमटून गेलां आनी आपणाक घुंवळ येवपाक पावल्या अशें ताका दिसूंक लागलें.

सगळ्या वाटारार उजवाड पातळायत चंद्र हळुहळू मळबांत उंच उंच सरत राविल्लो.

– देवा सायबा! हो भास म्हाका खंयच्यान जायत रावला? दों फेर्नांद आपणाकडेनच पुटपुटलो; इंडियेत जळीमळी विखारी वनस्पत आनी आपल्या आसऱ्याक आयिल्ल्याचो

जीव घेवपी झाडां आसात हें हांवें आयकलां. पूण हें मर्ण कुडीक आनी मनाक सुखदिणे आसा. ग्रीक देवतांमदली सौंदर्यदेवता व्हिनस हिचेसारकी सुंदर, बांधेसुद आनी भक्ती करपाक फावो अशी बायल आपले कुशींत आसा अशें सपन पडत? तिच्या उन्मादक आनी कसलीच ताकीत नाशिल्ल्या सांगातान तिचे वेंगेत मर्ण येवप!!

एका ल्हान पुण घटमूट हातान ताच्या बावळ्याक घट्ट धरलो आनी ताका झाडांच्या वंयेभितर ओडलो आनी दुसरो हून आनी रेशमासारको मोव हात ताच्या ओंठांचेर विसावलो. दों फेर्नांदाची कूड थरथरली, पूण ती भयाक वा अजापाक लागून न्हय; ताका सुचित केल्लेप्रमाण तो मोन्यानी रावलो; ज्या हातान ताचो बावळो घट्ट धरिल्लो ताणे आतां ताच्या गळ्याभोंवतणी वेडो घालो. रेस्मी वस्त्रान सदळ धांपिल्ल्या एका सुगंधीत हड्ड्याचेर ताची तकली आता विसावली; ताचें तोंड आनी तकली सळसळीत केंसांच्या लोंबत्या पडद्याभितर लिपून उरली; दों फेर्नांदाचो एक हात ताचे नकळत आपशींच ताच्या आदाराक आयिल्ल्या कमराभोंवतणी रेवाडलो आनी विजेच्या ल्हारान तो भारावन गेलो. तेच स्थितींत आपणाक मर्ण येवचें अशें ताका दिसलें.

इतल्यांत ताचे फाटलेवटेन रस्त्यावयल्यान शाराकडेन वचपी लोकांच्या पावलांचो आवाज आनी तांच्या उलोवण्याचो बोबाट ताचे कानार पडलो. तांच्या उतरांचो अर्थ मात ताका कळनाशिल्लो.

रस्त्यावयल्यान चलपी लोकांची नदर आपणाचेर पडची न्हय म्हणून आपणाक वंयेच्या आडोसाक लिपोवन दवरला हें ताच्या लक्षांत आयलें.

बोबाट हळूहळू कमी जायत गेलो आनी नाच जालो. पूण वेंग आनी मौन बरोचवेळ तिगलीं.

त्या हड्ड्याची वाटकुळसाण आपलेपसून पैसावत आनी त्या दीर्घ वेंगेंतल्यान आपूण निसटन ह्या भयान दों फेर्नांद स्वासोस्वास लेगीत जतनायेन करूंक लागलो.

आपणाक पडत आशिल्ल्या सपनाची जाण येतकीर जसो एकाद्रो मनीस ते मोडत म्हूण जसो आंग लेगीत हालोवंक भियेता तशी दों फेर्नांदाची स्थिती जाल्ली.

निमाणें ताणें आपल्या ओंठांचेर आशिल्लो तिगेलो हात आपल्या हातांत घेतलो आनी त्या हाताचे आपले ओंठ तेंकयले.

ती चली एकदम फाटीं सरली.

एका खिणाउपरांत तिणें ताचो बावळो धरलो आनी ताका रस्त्यावयल्यान शारांतसावन तांचेवटेन येवपी दिव्यांचो उजवाड दाखयलो.

– हे कोण आसत? दों फेर्नांदाचो प्रस्न.

– तुज्या बापायन तुका सोदपाक धाडिल्ले चाकर.

- तूं म्हाका वळखता? ताच्या ह्या प्रस्नाक ताका जाप मेळ्ळीना.

(४)

पंदराएक मिनटांउपरांत, आपल्या पुताक घरा परतुंपाक बरीच रात जाल्या म्हूण हुस्को करतल्या गोवेर्नादोरान ताका सोदपाक धाडिल्ल्या चाकरावांगडा दों फेर्नाद लाफियांचाच्या उजवाडांत पलासींत भितर सरलो.

मदल्या सालांत ताका आपलो बापूय आनी एक पाद्री उलयत बसल्यात ते दिसले. त्या पाद्रीचें नांव आसलें फ्रांसिस्क शावियेर. उदेंतेकडल्या वाठारात ताणे बरीच नामना जोडिल्ली. तो खूब पयशिल्ल्यान आयिल्लो आनी आपणें थंय केल्ल्या कार्याची म्हायती तो गोवेर्नादोराक दितालो. भव्य मुखामळायले ताचे प्रकाशमान दोळे मोगान उजाड मारिल्ले. ताच्या तोंडांत आशिर्वादाचीं उतरां आसतालीं आनी ताचे हात आशिर्वाद दिवपाक आवंडेताले.

- हो वल्हयान म्हगेलो पूत आयलो. दों जुवांव द काश्तान पाद्री फ्रांसिश्क शावियेराक आपल्या पुताची वळख करून दितना सांगलें. तुजें न्हाण आटपपाक खूब वेळ लागलो; कसल्या गजालींचो अतिरेक हो ह्या हवामानांत प्राणघातकी आसता.

दों फेर्नादान बापायच्या हाताचो उमो घेतलो आनी तो फ्रांसिश्क शावियेरामुखार तकली बागोवन उबो रावलो.

- तुमच्या हाताचो ताका उमो घेवंक दियात आनी ताका तुमचे आशीर्वादय दियात, गोवेर्नादोरान पाद्री फ्रांसिश्काक सांगलें.

दों फेर्नादा पाद्री फ्रांसिश्काच्या हाताचो उमो घेतलो आनी ताणें आशिर्वाद दितकीर म्हळें,

- हांवें तुमचेविशीं खूब आयकलां, पाद्री फ्रांसिश्क.

- तुमच्या बापायकडल्यान, सिन्योर?

- तुमचेकडल्यान, तुमच्या कामांवरवीं आनी चड करून तुमच्या परोपकारी कार्यावरवीं. तुमच्या शिकवणीपरसय तुमचें हें कार्य चड मोलादीक आसा.

खऱ्यानीच हो तरणाटो उमदो आसा, पाद्री फ्रांसिश्कान दों जुआंवाच्या कानांत सांगलें. इतले ल्हान पिरायेचो तरीकय इतलो धीरणी.

- थोड्याच दिसांनी तुमी ताका शूरवीर म्हणटले. हांव ताका एक मानाचो हुद्दो दिवपाचो आसा.

-- देव ताजें रक्षण करूं! देव ताजें रक्षण करू! पाद्री विचारमग्न जायत पुटपुटलो.

– आदेवश, फेर्नाद. आतां तूं आमचो निरोप घेवन न्हिदपाक वच. फाल्यां फांतोडेर

तुका शिकारेक वचपाचें आसा. तेखातीर तुवें विसव घेवन ताजोतवानो आसप गरजेचें आसा.

– ह्या वगतार कुंभारजुवेंच्या कालव्यांत न्हावप! हें कशेंच शक्य ना. थंय सुकती आयल्यार कितलोसोच वगत जालो. आनी हो तर सामको तापिल्लो आनी शेणिल्लोसो दिसता, फ्रांसिश्क शावियेर पुटपुटलो.

दों फेर्नांद आपले कुडींत भितर सरलो आनी थंय आशिल्ल्या एका शिसवी लाकडाच्या नक्षीदार झोंपाळ्याचेर उशाक फाट तेंकोवन बसलो.

ताची मनस्थिती अफू वा हाशीश घेतिल्ल्या मनशावरी जाल्ली.

परगण्यासावन हाडिल्लो आनी पलासींत पाळिल्लो पोपट पलासभर उलयत फिरतना काणयांतल्या भुतांचें रूप घेवन आपणाक उठपाक आनी धाडसाच्या मोहिमेचेर वचपाक शिटकायता आनी दामांवसावन हाडिल्लो मार्तिन्य घोडो आपणाक चकचकीत रानावनांतल्यान ऐशआरामान भरिल्ले सुवातेर व्हरपाक फुरफुरता अशें ताका दिसूंक लागलें.

तो पलासींतल्यान भायर सरतालो आनी आपल्या सपनांच्या पाखांचेर बसून भरगच्च रानां हुंपतालो. रानांतल्या किलकिलाटान आनी वासान मातय काचाबूल जायनासतना वा भियेनासतना वा पुरो जायनासतना तो वाट चलत रावला, तें पळोवन रानटी जनावरांक आनी पक्षांक ताचो दुस्वास जातालो.

मळबांतली नक्षत्रां सकयल देंवून फुलांभितर मिसळटालीं आनी नाचतालीं. त्या झगझगीत वाठारांतल्यान तो यश मेळयिल्ल्या धाडशी विरावरी चलतालो.

रान सोंपतकीर तो एके व्हड आनी रूंद न्हंयेदेगेर पावलो. धवीं शिडां आशिल्लीं व्हडीं ते न्हंयेतल्यान फिरतालीं. ताचे सामकार आयिल्ल्या दरेक व्हड्यांतल्यान बायलांनी गायिल्ल्या कवनांचे सूर ताच्या कानार पडटाले.

एका व्हड्यांत गायतालीं :

– फोंडेंच्यो सोबीत मोयरिणी
उदेंतेंतल्या सुर्यावरी
कडकडीत, हुनहुनींत;

पूण मर्दनगडा माथ्यावयल्यान
दुबावी दादले तेळीत रावल्यात
आनी हें व्हडेंय थंय पावना.

फोंडेंच्या चलयांनो !
तुमच्या मोगांत पडप म्हळ्यार
व्हडलें कवन! व्हडलें सपन !!

दुसऱ्या व्हड्यांतल्यान :

मध्यानराती...
स्वप्नेतले प्रियेक पळोवन
कुशीत रिगलो मोगी,
शृंगाराचो ओतो देखून
उषा लजेवन वोगी.

सुर्याच्या किर्णावांगडा
येवन नाका जाग,
वेंगेंतल्या मोग्याक पळोवन
तोंडार अनुराग!

तिसऱ्यान गायनाली :

– ती वाट पळेता, सपनेता, आवंडेता
जोरान तापिल्लो मोग;
चलयेची बायल, घडोवन
दिवपी तिका भोग.

इतल्यान न्हंयेचे देगेकडल्यान एक सोनेरी आनी धवें व्हडे वचूंक लागले. त्या व्हड्यांत दिव्यांचो आनी दिवट्यांचो उजवाड चकचकतालो. तें व्हडें ह्या ताफ्याचें मुखेल व्हडें आशिल्लें. व्हड्याभितर हडव्या दामाश्काच्या कोचाचेर भांगराशिंगरांनी आनी फुलांमाळांनी शिंगारिल्लें मोगरें आड पडिल्लें. सुंदरकायेचो आदर्श नमुनो आशिल्लें तें मोगरें नाका पळेतालें आनी आपयतालें.

पूण जेन्ना तो न्हंयेदेगेवयल्यान त्या व्हड्यार वचपाक उडी मारूंक वतालो तेन्ना सांमाल्याचो वारो येवन शिडांत शिरतालो आनी व्हडें ल्हारांचेर वयर सरून नाच जातालें. पयशिल्ल्यान त्या व्हड्यांतल्यान रडचे सूर आयकूंक येताले:

तारयांनो, न्हवरो म्हजो
वाट पळेता पलतडी.
सवकासायेन चलता व्हडें
तांडीत रावात वेगीं
जितली खंत, जितली पिडा
सोंसतात चलयां काळजां,
तितलीच खंत, तितलीच पिडा
भोगतात चल्यां काळजां!

म्हणटा म्हणसर त्या देखाव्याचेर कुमांचो दाट पडूडो पातळ्ळो; ल्हारांच्या खळखळाटाचो जागो झुजाच्या खणखणाटान घेतलो; दंवाचें रूपांतर धुंवरांत जालें; त्या धुंवरामजगतीं नाळींचीं भगभगीत तोंडां मदींमदीं दिश्टी पडटालीं आनी आपल्या गडगडाटान दोंगरांच्यो कुशी हालयतालीं. झुजाचो खणखणाट, घायाळांचो तळतळाट, जेत्यांचो जयजयकार, पडिल्ल्या वणटींचो गडगडाट, घोड्यांच्यो खिंकाळ्यो, हुकमांचे गंभीर आवाज, तुताऱ्यांचो अखंड नाद, बुटांचो खडखडाट, नाळींच्या चाकांचो घरघराट, व्हड झुजांतले व्हड व्हड आवाज, व्हड व्हड खणखणाट आनी उजाचो संहारक थयथयाट; उज्याच तांबड्या उजवाडांत, रक्ताच्या प्रचंड तळ्यांत आनी जिणेच्या आनी मरणाच्या प्रचंड चक्रीवादळांत घुस्पल्लीं लश्करां.

एका सोबिवंत घोड्यार बसून तो झुजतालो आनी फुडारपण करतालो. एक आवाज ताज्या कानांत गुणगुणटालो:

– फुडे सर! म्हजे म्हऱ्यांत धांवत यो आनी म्हाका जीख! हांव यशोदेवता. तो तिका पळेतालो आनी ताच्या दोळ्यांसामकार ताच्या जिवलग मोगऱ्याची मूर्त साकार जाताली. भांगराच्या पारदर्शी फांटभुंयेचे मोगऱ्याची प्रतिमा सोबून दिसताली.

आनी एक आवाज ताज्या कानार पड आनी ताका सांग : जैतवंत वीरा, झुज सोंपलें. तुजीं शस्त्रां सकयल दवर आनी म्हज्या हड्ड्यार विसव घेवपाक यो. हांव प्रेमदेवता हें ध्यानांत दवर. आनी पांचव्या रंगाच्या पारदर्शी फाटभुंयेचेर ताका तीच प्रतिमा दिश्टी पड. एके फुलबागेत फुलवेलींनी शिंगारलेल्या माटवापोंदा ती चौथऱ्याचेर बसल्या. थंय आपूण तिगेल्या वेंगेंत आसा. तिज्या भरदार आनी धडधडट्या हड्ड्यार विसविल्लें आपलें थकिल्लें तोंड तिगेल्या काळेशार आनी सळसळीत केंसामंदीं लिपिल्लें आसा हो देखावो ताका दिश्टी पड.

यशोदेवता आनी प्रेमदेवता हांचें एकाच आदर्श मनशाकडेन लग्न जाल्ले.

ताजो घोडो जमनीवयल्यान वयर उडून त्या अद्‌भूत देखाव्याफाटल्यान उडत राविल्लो.

तो लखलखीत देखावो मळबांत उडत रावतालो आनी एकाद्रे उल्केप्रमाण वेगान सकल शेंवदून रानाच्या पांचव्या झाडांमदीं नाच जातालो.

ताज्या घोड्याक वेलींच्यो आनी ल्हानल्हान झाडांच्यो जाळयो तोडून वचप जमलेंना. ताका लागून तो झाडांच्या वयल्यान उडत रावून ते चकचकीत सुवातेची सोद घेत राविल्लो. निमाणें ताणें ती सुवात, जंय दों फेर्नांदाक आपल्या कश्टांचें इनाम आनी विसव मेळटलो आशिल्लो, सोदून काडली.

दों फेर्नांद घोड्यावयल्यान सकल देंवलो. कश्टान पावलां घालीत तो ते दाट

झाडयेंनल्यान चलत रावलो. अकस्मात उजवाडाचो एक कीणं ताचे नदरेंत आयलो. त्या किणांचो उजवाड तो लागी पावता पावता तितलो खर जायत वतालो. उजवाडा म्हऱ्यांत पावनाफुडें तो खुशालभरीत जालो.

एका अवाढव्य वडाच्या झाडामदल्यान तो उजवाड येतालो. पुराणांनी वडाचे वर्णन एक कल्याणकारी आनी रानावनांत वाटसरूंक आसरो दिपली झाड म्हूण केल्लें आसा. त्या झाडापोंदा कितलेशाच लोकांक विसव घेवपाइतली शितळ आनी हवेशीर सुवात आशिल्ली. ताच्या दरेक खांद्यांतल्यान एकेक मूळ सकल देंवून जमनीत घट्ट रोमिल्लें. वडाक सकल्यान आदार दिवन वयर उबारून दवरपी खांब्यांवरी तीं मुळां दिसतालीं. त्या वडाक कितलेशोच ढोली आशिल्ल्यो. कितलेशेच खांबे, कितलेशोच कमानी, कितलेशोच पाटयो आनी कितलेशेच वांशे आशिल्ल्या एका व्हड देवळावरी तो वड दिसतालो.

झाडाभितल्ल्यान आयिल्ल्या त्या खर उजवाडांत झाडापोंदा न्हिदिल्ली एक सुंदर बायल दों फेर्नांदाच्या नदरेक पडली. ती कोण हें जर ताका खबर नाशिल्लें जाल्यार एक देवनाच थंय विसवल्या अशें ताका दिसपाचें.

कुशीक आशिल्ल्या एका तांबड्या खडपावयल्या सुवासीक फुलझाडाच्या आनी फुलवेलींच्या हुमकळ्ळ्या फांद्यांतल्यान सकल मातिल्ल्या शेळ्याचेर उदकाचे थेंब पडत रावन तांची धार खाला आशिल्ल्या तळयेंत पडत राविल्ली. ते तळयेंत साळको फुल्लिल्ली आनी तळयेसभोंवतीं आशिल्लीं गुलाबाचीं झाडां फुलानी सजिल्लीं. वडामदल्यान भायर आयिल्ल्या उजवाडाक लागून तरेतरेच्या रंगाचे जीव थंय भुल्लुसून येवन फुलांनले अमृत चोखपाखातीर घिरटयो घालताले.

पांचव्या आनी तांबड्या स्फटिकांच्या प्रकाशमान पडद्यांनी तिजी शेज सजयिल्ली वाऱ्यान ते पडदे हालनाफुडें पाचींचो आनी माणकांचो पावस पडिल्लेवरी दिसतालें. भिगांतल्यान उजवाड वतकीर तांचें तरेतरेच्या रंगांत जशें रूपांतर जाता तशें ह्या दोन रंगांचें वेगवेगळ्या रंगांत रूपांतर जायत रावतालें. निमाणें सूर्य उदेतकीर तांचें रूपांतर इंद्रनील मणी आनी वज्रांत जालें.

उपरांत...

एक चाकर. दों फेर्नांदाच्या कुडींन आयलो आनी शिकारी तांची वाट पळेतात अशें ताणें दों फेर्नांदाक सांगलें.

सकाळ जाल्ली.

(५)

मागरें घरा परतले. दारांतल्यान भितर सरचेपयलीं तें मातशें रावलें आनी ताणें फाटल्यान पळेलें. एक सावळी रस्तो हुपून कांय खिणाआदीं तें दों फेर्नांदा म्हऱ्यांत आशिल्ले सुवातेकडेन वंयेच्या झाडांमदल्यान भितर सरता असो ताका भास जालो.

एका थळाव्या मनशाची नदर काळखांत लिपचोरयां उगड्या आंगान वावुरतल्या दुसऱ्या थळाव्या मनशाक इतले रातीं पळोवंक शकता. ताच्या पावलांचो आवाज आयकुंपाक आयकतल्याच्या कानांची तांक उणी पडटा. ध्यान दिवन पूण चिंतेस्त मनान तें थंयच उबे रावलें. पूण ताका कांयच ना दिशिल्ल्यान वा कांयच आयकूंक ना आयिल्ल्यान आपणाक बेश्टोच भास जाला अशें येवजून तें घरांत भितर रसले.

आंगणात तांगेल्यो दासी, जांका तें इश्टिणीवरी वागयताले, उलयताल्यो आनी गायताल्यो. एका उशाक फाट तेंकोवन ते गादयेर आड पडलें. कांय दासी ताका आयण्यान वारें घालूकं लागल्यो जाल्यार एकेन एका रुप्याच्या तबकडेंत खावचीं पानां, सुपाऱ्यो, रुप्याची आडकाटी आनी चुनो दवरपाचेर एक भांगराचो करंड हाडून ताजे मुखार दवरलो.

रोम शारांतल्या 'व्हिला बॉर्जेस' ह्या वस्तुसंग्रहालयांत उशाक फांट तेंकोवन कोचार आड पडिल्ले एकेबायलेचो 'कानोव्हा' ह्या शिल्पकारान घडयिल्लो एक पुतळो आसा. त्या खिणाक मोगऱ्याक पळोवन त्या पुतळ्याची याद जाताली त्या पुतळ्यांतल्या बायलेचें नांव 'व्हेनुस'. ती ग्रीक लोकांची एक देवता. सौंदर्य देवता. तिचेसंबंदान जायत्यो प्रेमकथा रचिल्ल्यो मेळटात.

व्हेनुश देवतेचे पांय मोगऱ्याभशेनच उगडे आशिल्ले आनी हड्डें हेर हड्ड्यांपरस उफाड्याचें आशिल्लें. पुतळ्यांतल्या देवतेन लज राखपाखातीर एक चादर आंगा उडयिल्ली जाल्यार मोगऱ्याच्या आंगार एक शेंदुरी रंगाची रेस्मी साडी आशिल्ली. तिजो एक खांदो आनी अर्द हड्डें तिच्या केंसांसकयल लिपून उरिल्लें. तिचें तोंड तिच्या एका हातार विसविल्लें आनी तिगेल्या ल्हान पांयांची नाजूक बोटां चुळबूळ करीत राविल्लीं. एके दासीन तिजे पांय आपल्या हातांमदीं घट धरले आनी ती ते मायेन चेपीत रावली.

थांबिल्ले उलोवणे परत सुरू जालें.

– काल सकाळीं जुंव्यार शिकार करीत हिंडटालो; मागीर हेवटे झरीकडल्या भाटांत आयलो आनी म्हजेकडेन उदक मागलें.

– तुवें दिलं मूं?

– दिलें. कित्याक दिवचें नाशिल्लें?

– किरिस्तांवाचें तोंड कितलें अपवित्र आसता तें तूं नकळ व्हय?

– भियेवं नाका. रोकडोच हांवें तो कळसो मातयेन आनी गोबरान घांसून शुद्ध केलो. ताणें हांसत हांसत म्हजेकडेन पळेले, उपकार मानले आनी म्हाका हो रुपयांनी भरिल्लो बोटवो दिलो.

– ताणें आनीक कांयच सांगले ना?

– सांगलें. जायतें सांगलें. पूण म्हाका तांतलें मोगरें हें एकच उतर समजलें. म्हाका किरिस्तांवाची भाशा समजना हें हांवें तांकां सांगतकीर तो चलूंक लागलो.

– सांजचो हांवें ताका न्हंयेचेर पळेलो.

– तूं ताका चोरयां पळेंत राविल्लें तर?

– हय तर! झाडांवेलीच्या सकयले वटेन तो उदकांत अर्द धड बुडोवन उबो आशिल्लो. ब्रम्हदेवाच्या पुडल्याभशेन तो गोरोपीट्ट आसा आनी तसबिरींतल्या विष्णूपरसय तो कितलोसोच सुंदर दिसता.

– तो राजाचो (विसेरेय) पूत.

एक दासी गावंक लागली :

– मांडा नदर धर्तरीकडेन
मांडये नदर मळबाकडेन
मांडाक मारता ताठाय
मांडयेंत तारता नमळाय

मोगऱ्यान त्या गावपी चलयेवटेन पळेलें आनी तें परत न्हिदलें.

– इतली दुःखी कित्याक लागून, भाटकान्नी!

– म्हाका पुरो जालां.

– भंगू बावडेचो! तुजो नवरो येतलो म्हूण तूं तेळींत आसा; तो येवपाक आतां उशीर ना हें तूं बरेंभशेन जाणा.

– हांगाची चलात पळोवया! म्हाका न्हीद येता आनी तुमी गजाली करीत रावल्यांत? ...

– दासी भायर गेल्यो.

दाराकडेन पावतकीर एकटेन फाट फिरयली आनी विचारलें :

– फाल्यां सकाळीं शिकार पळोवपाक वतलें मूं?

– हय तर.

भायल्यान पदाचे सूर आयले :

– दुखेस्त मनीस सदांच रडटा व्हय?

दर्या सदांच भितल्लीं खडपां दाखयता व्हय?

खोशयेन मनीस सदांच हांसता व्हय?

दोळे धांपिल्लो मनीस सदांच न्हिदता व्हय?

ते रातीं मोगऱ्याक कशीच न्हीद पडलीना. दुसरे दिसा ताज्या दोळ्यांच्यो पापण्यो सामक्यो चुरचुरताल्यो. खंयच्याच किरिस्तांव दोळ्यांनी ताजेपरस सोबिंत अशी थळावी बायल पळोवंक नाशिल्ली.

दुसरे दिसा सकाळीं सात वरांच्या सुमाराक माशेलांतल्या झिर्लीनी शिकाऱ्यांची भोंवडी सुरू जाली. आयज ह्या सुवातीनी शेतां आनी माडाचीं भाटां दिसतात. पूण ते मुस्तींत तीं सामकी उजाड आशिल्लीं. आयज हो वाठार पुर्तुगेजाच्या शेकाखाला आसा. पूण ते मुस्तींत तो सौंदेकाराच्या वा मराठ्यांच्या शेकाखाला आशिल्लो. आमच्या गोंय शाराचेर घुरी घालपाक केन्नाकेन्नाय येवपी लोकांची वाट ह्या वाठारांतल्यान आशिल्ली. ते वाटेन ते कुंभारजुव्यार येवन थंय ठाणें करून रावताले. ज्या दारांतल्यान दों फेर्नांद दिसपट्टो भायर सरून कुंभारजुवेंच्या कालव्यार न्हांवक वतालो तें दार कुंभारजुवेंच्या सामकार उरतालें. ह्याच दारांतल्यान आपल्या दुस्मानांचो पाठलाग करीत किरिस्तांव फौजो धांवत सुट्टाल्यो.

आमचे लोक ह्या मळांनी खुबदां शिकारेखातीर वताले. हांगावतना आनी थंयसून परततना दोन कालवे हुंपचे पड. ताका लागून थंय शिकारेक वतना मोठे प्रमाणान मनीसबळ आनी सामानसुमान वांगडा व्हरचें पड.

हालींच गोंयांत पाविल्ल्या दों फेर्नांदाक असल्या धाडशी शिकारेंत वांटो घेवपाची उमळशीक आशिल्ली. दों जुआंव द काश्त्रान शिकारेची जय्यत तयारी केल्ली आनी भोंवडेर वचपाक व्हड संख्येन लोक एकठांय केल्ले. हे शिकारेच्या रुबाबाची आनी तांतूंत वांटो घेतिल्ल्या व्हड संख्येची याद बरोच काळ लोकांच्या मनांत तिगून उरपाची. दों जुआंवान आपल्या पुताक जड अंतस्कर्णान निरोप दिलो. ताका शिकारेक धाडून आपूण चूक बी करिना मूं अशें ताका दिसूंक लागलें.

सूर्य उदेता म्हणसर रान काडपी भोंवडेकार आपली ढोलकीं, झांजो, टाळ, शिंगां आनी सुणीं सांबाळीत दोंगरां माथ्यांचे रानाक वेढो घालपाखातीर शिंपडून राविल्ले. देगणांतल्या झाडयेंत शिंपडून राविल्ले शिकारी दोंगरावयल्यान सकयल देवपी वांटो तेळीत आपलीं आर्मां तपासून पळेताले. अकस्मात दोंगरा माथ्यांवयल्यान ढोलकीं, टाळ, झांजो आनी शिंगां वाजिल्ल्याचे आवाज आनी सुण्यांचो बोबाट सुरू जालो. भोंवडेकार आपलो वेढो आंवळीत जसजशे देगणा दिकेन येवंक लागले तसतशीं ह्या

बोबाटान गोंदळ्ळेली आनी भियेल्ली सावजां आपल्यो धोली सोडून देगणा दिकेन धांवत सुटली.

म्हणटा म्हणस सबळ्यल्या रानांमदल्यान शिकाऱ्यांनी फारपेट सुरू केलो. खिणाखिणाक वाडटे सख्येन फारांचे आवाज आयुकूंक येवंक लागले. पूण हे सगळे फार वांझोटे आशिल्ले. ना तांका प्रतिध्वनी आशिल्लो, ना ताणीं घायाळ जावन खंयचेंय सावज वळवळटालें. ना तांका लागून खंयच्याय मनशाचे हर्षोद्गा आयकूंक येताले. भोंवडेकारांचे रसरशीत आनी कर्कश बोबाटेमुखार हो फारपेट सामको निर्जीव आनी किण्णसो भासतालो.

ज्या ज्या सुवातीवयल्यान हो शिकारेचो खेळ पळोवपाक मेळटालो त्यो त्यो सुवाती न्हवू न्हवू लोकांनी भरून गेल्यो. तांचो रंगीबेरंगी भेस ह्या शिकार समारंभाची सोबा वाडयतालो आनी थळावे लोकांचें खाशेलपणय नदरेंत हाडटालो. गोंयची कितलींशीच मोयर, हिंदू वा किरिस्तांव घराणी बोंदेरांनी सजयिल्ल्या व्हड्यांतल्यान कालव्यांतल्यान हेवटेन तेवटेन वचन रावील्ली. सूर्य उदेता म्हणसर हो वाठार मनशांची गच्च भरून गेल्लो. झाडांच्यो फांदयो जोरान हालत राविल्ल्यो. मातय वारो नासतना त्यो कशो हालत रावल्यात हो प्रश्न थंय जमिल्ल्या मनशांमुखार उबो रावतालो. पुण मातशे बारकायेन पळेल्यार भियेवन वा उत्सुकतायेन एकठाय जमिल्ली डझनानी वा शेंकड्यांनी माकडां रानांतल्या झाडांच्यो फांदयो हालयत राविल्लीं, हें कळून येतालें.

सूर्य मळबांत वयर सरत राविल्लो. वत खर खर जायत वतालें. वाऱ्यान दडी मारिल्ल्यान रानांतलें एकय पान हालिनाशिल्लें. फक्त कालव्यादेगेर मात मंद मंद वारें व्हांवतालें.

शिकारी आपापल्या सुवातीनी आर्मां जोखून तयार राविल्ले. तांचे सामकार धांवत वचपी चितळां, मेरू, कालयो ते वेगी रावन पळेताले. आपले फार ताणीं वाग, बिबयो, कोले आनी तरसां हांचेखातीर राखून दवरिल्ले.

इतलें जायसर कांय तरसां आनी बिबे शिकारी उबे आशिल्ल्या सुवातीम्हऱ्यांतल्यान चोरयां निसटलीं. पूण धाणयो वाग आपल्या सावध आनी दुबावी सभावाक लागून भोंवडेकार लागीं पावपाची वाट पळेत राविल्लो.

दों फेर्नांद जे उंचायेचेर उबो आशिल्लो ती सुवात कालव्या लागसारच नैऋत्य दिकेवटेन आशिल्ली. जे तरेन तो आपले भोंवतणी पळेतालो आनी आयकतालो तिचेवयल्यान ताचें मन अस्वस्थ आसा हें दिसून येतालें. एकादऱ्या पानाची हालचाल, एकाद्र्या किड्याची गुणगुण वा वाऱ्याची झुळूक लेगीत ताचे लक्ष वेधून घेताली. चाप ओडून तयार दवरिल्ले. एक व्हडलें आर्म ताच्या हातांत आशिल्लें. मदीमदी ताचो एक

हात कमरपट्ट्यान खोयिल्लो शिकारेचो सुरो आनी दोन लांब पल्ल्याचीं दोट्टी कार्तुशाचीं पिस्तोलां जाग्यार आसात काय नात हें सांसपून पळेतालो. शिकार उब्यांनी करपाची आशिल्ली.

भोंवडेकारांचो वेढो हळूहळू गच्च जायत गेलो. इतल्यांत रानांतल्यान धाणया वागाची डरकाळी आयकूंक आयली. भोंवडेंत वांटो घेवपी शंबरएक मनशांनी आपल्या घोगऱ्या आवाजान त्या डरकाळेची नक्कल केली. हजारों पळोवपाच्या तोंडांतल्यान उतरां आयली : धाणयो वाग.

एकोड्या शिकाऱ्यांच्या काळजांत अशा प्रसंगार कितली भिरांत उप्रासता हाचे वर्णन कोण करीना. फारपेट थांबलो. दरेक शिकारी भयान धवोफिक्कट दिसतालो आनी धांपेतालो. पूण निर्धारान आपापल्या सुवातेर घट्ट उबो रावून सावज उगड्यार येवपाची वाट पळेतालो. सकयल्या वाठारांतलो बोवाळ अकस्मात थांबलो. एके धाडशी घडणुकेची वाट पळेत सगळे उत्कंटेन राविल्ले. नेटान भोंकणे कुत्रे मात वयल्या रानांतल्यान उडयो मारीत सावदांचो सोद घेत धांवताले. उश्ण कटिबंधांतल्या कडक वतान सगळो वाठार धगधगतालो आनी शिकाऱ्यांची आंगां भाजून वताली. झाडांझोपांकुशीक उबे आशिल्ले बगळे आपल्यो मानो वयर काडून सुर्याक पळेताले आनी झटको बशिल्लेवरी थरथरून मानो परत सकयल घालताले.

शिकार पळोवंक आयिल्ल्या बायलांचीं काळजां खिणांत बावतालीं जाल्यार खिणांत फुलतालीं. बायलांच्या काळजात पारव्याची थंडसाण आनी हिंसक जनावरांचें क्रुरपण हांचें प्रमाण दादल्यांपरस चड प्रमाणांत आसता जावये!

हो प्रसंग भिरांत दिसपासारको आशिल्लो आनी त्या वाठारांतली किण्णसाण गंभीरतायेची आशिल्ली.

अकस्मात दों फेर्नांदाक आपले तकलेवयले केंस उबे जाल्यात आनी आपल्या आंगांतलें सगळें रगत उसळी मारून काळजावटेन व्हांवता अशें दिसूंक लागलें. कसलीच हालचाल करीनासतना तो आसा थंयच वोग्गी रावलो. ताचे उजवे कुशीक धाएक पावलांचेर झोंपां हालिल्ल्याचो आवाज आयलो आनी ताळयो कुशीक सारून कोणय तरी नैऋत्येकडल्या देगणांत आसरो सोदपाखातीर चोरपावलांनी वचूंक लागलो. हें देगण अशीर आसा आनी ताचे कुशीचे कडे सामके खर आसात. दों फेर्नांदान ही अनवळखी हालचाल जाताली ते सुवातेकडेन आपली नदर फिरयली. सुमार तीसएक पावलांचेर ताका तें वतान चकचकपी धश्टपूश्ट सावज दिसलें. ताबडतोब ताणें आपलें आर्म ताचेर जोखलें. पूण तितल्यांत तें सावज नाच जालें.

त्या देखाव्यान ताचेर इतली भूल घाल्ली कीं आपल्या वांगड्याक कसलीच

शिटकावणी दिनासतना तो ते दिकेन धांवत सुटलो. सामकार आशिल्लो दोंगर चडून ताणें माथ्यावयलें एक व्हड मळ हुंपलें. आपले दावे कुशीक पाताळिल्ली दोंगरां रांग पळेनाफुडें सावज न्हंयेकुशीक आशिल्ल्या रानांत लिपून रावूंक सोदतलें हें ताका कळून आयलें. थंय वचपाची वाट अदीक सरळ आशिल्ली. पूण इतलो वेळ खर चडटी हुंपची पडिल्ल्यान आनी खूब वेळ मळावयल्या धांवचें पडिल्ल्यान ताका सामकें पुरो जाल्लें. लागसाराकच एक व्हड चिंचेचें झाड आशिल्लें. चिंचेपोंदची शितळ सावळी पळोवन कोणाकय थंय विसव घेनशे दिसपाचें. आपलो फुडलो रस्तो देंवतेचोच आशिल्ल्यान सावळेंत मातसो विसव घेतल्यार आपलो प्रवास बेगीन जातलो अशें येवजून तो सावकासायेन झाडाच्या सावळेंत शिरलो. आपलें उजवें धोंपर जमनीर तेंकोवन ताणे दिमी मारली आनी आपलो दावो कोपर एका खडपाचेर तेंकयलो. ते उंच सुवातेवयल्यान सकयल पसरिल्लो सोबीत वाठार ताचे नदरेखाला आयलो. एक लांबट चौकोनी तळी ताका दिश्टी पडली. तळयेंतलें उदक ताजें आनी नितळ आशिल्लें. तळयेभोंवतणी चिंचो आनी काजींनी भरिल्ले रान आशिल्लें,

दोन मिनटांच ताणें थंय विसव घेतलो. पूण ह्या थोड्या काळांत ताच्या दोळ्यांसामकार जें नाट्य घडलें ताचें कथानक आनी तांतल्यो अद्भूत घडणुको फक्त उदेंतेकडल्या देसांनीच घडपाच्यो.

देगणभर पाताळिल्ल्या गच्च झाडांक लागून सकयल्या वाठारांत सुर्याची किर्णां सोपेपणान रिगनाशिल्लीं. एक हिंदू चली तळयेंत न्हावन निकतीच वयर सरिल्ली. तिज्या मेकळे सोडिल्ल्या केंसांतल्यान उदकाचे थेंब गळत राविल्ले. तिजो एक हात दुसऱ्या हातांतल्या कांकणांवांगडा खेळटालो जाल्यार एक पांय तळयेंतल्या उदकावांगडा. आंगार तिणें एक निळी साडी रेंवडायल्ली. तिज्या माथ्यावयर आशिल्ले चिंचेवयल्यान झडत राविल्लीं फुलां नी एक कळकळ जाल्लेवरी तिका शिंगारीत राविल्लीं. ताचे हे मायेमोगाचे वागुणुकीक लागून ती खुशालभरीत जाल्ली हें तिज्या तोंडावयल्या हांशावरवीं परगट जातालें. तिगेले दांत ल्हान आनी धवेफुल्ल आशिल्ले. पूण ह्या हांशक एके तरेची दुःखाची झांक आशिल्ली. तिजे दोळे मोटे आनी चैतन्यमान आशिल्ले. तिजें लांबोडें फिक्कट मुखामळ गंभीर आनी विचारमग्न दिसतालें. तिजी कूड लांब आशिल्ली आनी पिराय अठरा वर्सांची आशिल्ली. दिसपाक ती नियोब वा रेश्फा हांचेसारकी सुंदर दिसताली.

ती कसल्या तरी विचारांत घुस्पल्या वा कसली तरी उत्कंठा तिका सतायत रावल्या हें जे तरेन ती दोशीवटयां परतपरत पळेत राविल्ली ताचेवयल्यान कळून येतालें. खात्रीन ती कोणाची तरी वाट पळेत राविल्ली.

आपूण आयिल्ल्याची सुलूस तिका लागची न्हय वा तिणें आपणाक पळोवचें न्हय हाची जतनाय घेवन एक तरनाटो तिचे फाटले वटयां दोन पावलांच्या अंतरार रावून तिका पळेत राविल्लो. तो एक सुंदर थळावी तरनाटो आशिल्लो. ताच्यो मिश्यो आंकडेदार आशिल्ल्यो आनी एक जरीचो फेटो ताणें माथ्याक बांदिल्लो. तिज्या मोगांत पडिल्लेवरी तो तिका पळेत राविल्लो आनी आपल्या तोंडांतल्यान उतर फुटचें न्हय म्हणून सहजप्रवृतीन ताणे आपल्या हाताचें एक बोट तोंडार दवरिल्लें. तो मुमुरखेंच हांसतालो आनी तिजेकडेन खोशयेन आनी आदरान पळेतालो. एकेक्दां तो चिंचेचीं फुलां हातांनी पुंजावन तिज्या माथ्यार उडयतालो आनी आपणाक आडोस दिवपी काजीआड लिपतालो. उदेतेंकडल्या गांवगिऱ्या वाठारांतल्या प्रेमिकांचो तो म्होंवाळ खेळ आशिल्लो!

पयशिल्ल्यान येवपी शिकारेचे आवाज त्या झाडांवयल्यान वताले. पूण सकयल, ते चलयेन आपलो उदकांत बुडयल्लो पांय हलयनाफुडें उदक हालतालें ताचो आवाज मात आयकूंक येतालो. तळयेचे पलतडी तिजे सामकारच्या झोंपीतल्यान एक सोरपांची जोडी आपल्यो तकल्यो वयर काडून कुतूहलान तांचेकडेन मदींमदीं पळेत राविल्ली.

प्रेमिकांच्यो ह्यो दोन जोडयो आशिल्ल्यो ही तुळा दिसपाक सामकी विचित्र आनी भयंकर दिसुंये. पूण ते मुस्तींतले इंदियेंत असले जिवघेणे आनी मत्सरान भरिल्ले मोग सर्रास चलताले.

दों फेर्नांदाची कूड थरथरली. इतल्यांत एका नव्या नटान तेच खिणांत लिपचोरयां हे माचयेर पावल घालें. त्या हिंदू तरनाट्यासावन तीनएक पावलांच्या अंतराचेर वागाचें चेपटे आनी भिरांकूळ तोंड दों फेर्नांदाक दिश्टी पडलें,

तो वाग आंग बागोवन फाटीं सरता तें पळोवन दों फेर्नांदान वागाचेर नेम धरलो आनी गुळी सोडली. एक व्हड किळंच आयकूंक आयली. आर्मांतलो धुंवर पातळ जायनाफुडें, प्राण सोडचेपयलीं निमाणी तडफड करीत राविल्लो वाग एका दादल्याक पिसडीत रावला आनी हे पळोवन हादरून गेल्ली एक बायल आपले हात पातळावन आपल्या मोग्याच्या मड्याकडेन खोबण्यांतल्यान भायर सरिल्ल्या दोळ्यांनी पळेत रावल्या हो देखावो दिश्टी पडलो. एकय किळंच तिज्या तोंडांतल्यान भायर फुटलीना वा एकय दूक तिज्या दोळ्यांतल्यान गळ्ळेंना. फक्त कांय खिणांआदीं हांशान फुलिल्लें तिगेलें तोंड मात आतां सामकें रडकुरें दिसतालें. तिणें आपलें तोंड फिरयलें आनी तिची नदर सामकार आशिल्ल्या नागांच्या जोडयेचेर पडली. तांकां पळेत आनी दोळ्यांतल्यान उजो ओंकीत तीं दोगांय फडा फुलोवन उबीं राविल्लीं.

भूल पडिल्लेवरी ती तांचे दिकेन नेटान चलत गेली, तांचेर उडी मारली आनी

तांकां आपल्या पांयांनी माड्डूंक लागली. ताणी दंश करिनाफुडें ती आपल्या मोग्याच्या मड्यालागीं धांवत गेली आनी तिणें तें मडें वागाच्या पंजांतल्यान ओडून काडलें. त्या मड्याचेर तिणें घालून घेतले आनी आपलें तोंड ताज्या तोंडाक तेंकोवन उमे घेवत रावली.

इतले म्हणसर दों फेर्नांद ते अभागी चलये म्हऱ्यांत पावलो. त्या मोग्यांचें तें आंगार कांटो फुलोवयी मिलन पळोवन आदरान आनी भरिल्ल्या अंतस्कर्णान आपली मान बागोवन तो थंयच उबो रावलो. निमाणो उस्वास सोडचेपयलीं ते चलयेन ताजेकडेन पळेलें. मेल्ल्या वागाकडेन बोट दाखयलें आनी दों फेर्नांदाक उद्देशून म्हळें :

'तुजें बरें जावं!'

आनी एक चली खरशेन खरशेत तळये लागसारा पावली. तिणे दों फेर्नांदाचो हात आपल्या हातान घेतलो आनी म्हळें : 'हांव तुजो मोग करतां.'

कांय ख्रिणांभितर मनशांच्या पावलांचो आवाज आयकूंक आयिल्ल्यान मोगरें थंयच्यान नाच जालें. शिकाऱ्यांचो एक गट बोवाळ करीत थंय पावलो. सामकार पातापिल्ली तीन मडीं पळोवन ताणी आंग काडलें आनी विचारलें, 'हें किदें?'

'उदेंतेकडलें एक शोक नाट्य' दों फेर्नांदान जाप दिली.

दों फेर्नांदान शिकारवळार दाखयिल्ले धिटायेनिमतान पलाशीत बरेच दीस मेजवान्यो झडल्यो. वचन थंय दों फेर्नांदाच्या नेमबाजीची तोखणाय चलताली. खुद्द राजधानींत म्हळ्यार गोंय शारांत लोक ताणें एक लढाय जिकिल्लेवरी ताची तूस्त करताले.

पूण दों फेर्नांद मात विचारांत घुस्पल्लेवरी आनी दुःखी दिसतालो. खऱ्यानीच तो एका हिंदु चलयेच्या मोगांत पडिल्लो. ताच्या दोळ्यांसामकार मर्ण पाविल्ल्या त्या दोन मोग्यांचें चित्र ताका उदेंतेकडल्या वाठारांची एक भिरांकुळ बाजू दाखयताले.

एक दीस ताका तीं दोन अभागी मनशां कोण आशिल्लीं हें जाणा जावन घेवचेंशे दिसलें. तेचमाशेन ते तळयेकडेन परत एक फावट वचून आपल्या अंतस्कर्णांत कसले उमाळे आनी तकलेंत कसले उगडास उफाळून येतात तें अणभवचेशें दिसलें.

कालवो हुंपून तो पलतडी गेलो. जे माचयेर तें भयानक नाटक घडिल्लें थंय पावतकीर जळीमळी शिंपडल्लेलीं हाडां आनी रगताचे दाग आशिल्ल्यो लुगटाच्यो फाळयो ताचे नदरेक पडल्यो.

'किते? त्या अभाग्यांच्या नशिबांत कोल्यांतरसांच्या भकीक पडपाचें आशिल्लें कांय?' ताज्या मनांत विचार आयलो.

तळयेचें उदक मातय हालनाशिल्लें. ताचेर फुलां आनी पानां उफेतालीं. त्या वाठारांतल्या लोकांनी तळयेर येवपाचेंच सोडून दिल्ल्याची ती कुरू आशिल्ली.

जमनीर तणांत पडिल्लीं दोन कांचेचीं कांकणां ताका दिसलीं. तीं कांकणां ते दुर्दैवी बायलेच्या हातांतलीं आशिल्लीं हें ताका होलमलें. ताचे दोळे दुकांनी भरून आयले. ताणें तीं आपल्या हातान उबारलीं, आदरान तांचो उमो घेतलो आनी म्हळें : "दुःखी आनी सुंदर रेश्फा, निदान म्हज्या ह्या दुकांनीं तरी तुज्या उगडासाक आर्गां ओंपतां."

एके अवघड पांयवाटेन तो चलूंक लागलो. ती वाट रानांतल्यान उत्तरेकडल्यान दक्षिणेकडेन वताली. एक दोंगर हुंपतकीर तो एके देंवतेर पावलो. देंवती देंवून जातकीर तो दोंगरासकयल आशिल्ल्या गांवांत पावलो. गांवाच्या सभोवतीं माडांची झाडां आशिल्लीं. गांवा भितर सरनाफुडें ताका एक जुवान हिंदू चली कळशान बांयचें उदक काडटना दिसली.

ताणें तिजेकडेन पियेवपाक उदक मागलें. उदक पियेवन जातकीर, आपणावटेन पळोवपाक लेगीत तयार नाशिल्ले ते चलयेक ताणें म्हळें,

– बाय, तीन दिसांफाटीं सावजांनी मारून उडयल्लीं तीं दोगजाणां ह्या गांवचीं बीं आशिल्लीं व्हय?

– हय, पयलेच फावट ताज्या तोंडाकडेन पळोवन तिणें जाप दिली.

– तूं तांका वळखताली?

– राणी, म्हजी भयण आशिल्ली.

– हीं कांकणां तुजे वळखीचीं आसा?

– हय.

– हीं तूं व्हर. म्हाका तीं तिज्या हाडांमजगतीं मेळ्ळी.

ती चली एकदम फाटीं सरली. आपले दावे कमरेर तिणें कळसो दवरलो आनी तरतरीत चलूंक लागली.

थंय लागसाराकय एके खोंपीभायर एक जाणटेलो विडी ओडीत बशिल्लो. ताणें बांयकडेन कितें घडलां तें पळेलें आनी तांचे उलोवणेंय आयकल्लें. दों फेर्नांदाक उद्देशून ताणे म्हळें :

– भल्या भुरग्या, तांतूंत अजाप करपासारकें कांयच ना. तो सुदीर आशिल्लो आनी ती बामणीण.

दों फेर्नांदान तकली सकयल घाली. दोनय मोग्यांच्या नशिबांत आशिल्लो भोग कसोच चुकोवंक येना आसलो. कडक बहिश्कार. आनी त्या दोनय घराण्यांच्या नशिबांत दवरिल्ली सासणाची अप्रतिश्टा.

घरा परततना तो परत एक फावट ते तळयेकडल्यान गेलो. त्या दोगांयचे अवशेश पळोवन ताजें काळीज भरून आयलें.

– काकुळट बाबड्यांची! ताणे हुडक्यांनी रडत रडत म्हळें. ज्या देसांत फक्त जुनाट रूढींक म्हत्व आसा थंय तुमी काळजाच्या प्रेरणेनुसार वागपाचें धाडस केलें! तुमचेखातीर घरचीं लेगीत रडलींना, परक्यांनी खंत परगटायलीना आनी तुमचो निमाणो विधी लेगीत जालोना. क्रिश्ता, बऱ्या आनी मोगाळ देवा, तुका मोग करपी मनशांविशीं काकुळट आशिल्लीं आनी तूं वाळींत उडयल्ल्यांक लेगीत लागीं करतालो. तुका वळखनाशिल्ले इतले लोक कशे आसूं येता?... हे फिक्कट, दुखेस्त आनी सुंदर बायले आनी कोणें तुज्या बलिदानाखातीर शोक केलोना तरी हांव एकलो तरी तुजेखातीर रडटलोंच रडटलो. हे पाशाणाच्या काळजाचे मनीस तुका वळवळावन वळवळावन मारतलेच आशिल्ले. आपूण जावन तुवें मर्ण ओडोवन घेतलें हें मात एकदम बरें केलें. असल्या मनशांकडेन प्राणाची भीक मागचेपरस तुवें नागांकडेन मर्णाची भीक मागप पसंत केलें!

कसलो लोक! कसलो धर्म!

त्या दोगांयची जमनीर शिंपडिलीं हाडां आनी लुगटांच्यो फाळयो ताणें पुंजावन एकठांय केल्यो. दोन खडपांमदीं एक फोंड खणून जातकीर ताणें ते अवशेश फोंडांत दवरले आनी वयर माती घालून तो फोंड पुरयलो. मातयेवयल्यान फातर दाळून ताणें थडगें रचलें. माडाच्या चुडटाचो एक खुरीस तयार करून ताणें थडग्यार रोमून उबो केलो. मागीर लागसारकच आशिल्ल्या झाडांची फुलां काडून ताणें तीं त्या थडग्यार ओंपलीं आनी दिमी मारून तो थडग्यांलागीं बसलो,

– देवा सायबां, तूंच हांकां तुजेलागीं आसरो दी. तीं कोणाकच नाकां हें तर तूं पळेताच! रडत रडत ताणें म्हळें.

दुसऱ्या दिसा मनीस थाडून ताणें ते थडगें बरें माशेन बांदूक लावन थंय एक पाशाणी फातर बसोवंक लायली. ते फातरीर हीं उतरां कोंत्रायल्लीं आशिल्लीं :

देव, धर्म, समाज
हाणी फिरयली फाट,
हांचे परस मर्ण बरें
ताणें बांदली गांठ
सातदां तशींच जिवाणीं
खुशाल वसूं रानांनी
उपाट वाडून झाडांपेडां
भरून वचूं रानावनां

'हें कवीत एक तर दों फेर्नांदान रचिल्ले आसूये वा पाद्री फ्रांसिश्क शावियेरान.

ते दोगय जाण कवी आशिल्ले.'

(६)

एक दीस गोंय शारांतल्या लोकांक चर्चेक दोन नवे विशय मेळ्ळे. दों फेर्नांड द काश्त्र रोकडोच दिवाक तारवां घेवन वचपाचो आशिल्लो आनी मोगऱ्याचो नवरो त्याच दिसांनी गोंयां पावपाचो आशिल्लो.

गोंयचो येवरोपेव आनी किरिस्तांव लोक गोंयसावन सैन्य घेवन उत्तरेकडल्या पुर्तुगेज राज्यांनी वचपी हीं तारवां भायर सरपाचो दीस केन्ना उजवाडटा ताची वाट पळेत राविल्लो. मोगऱ्याचें लग्न मोठ्या थाटामाटान जावपाचें आशिल्ल्यान ताच्या लग्नाच्या दिसाची गोंयचो हिंदू लोक वाट पळेतालो.

कितल्यो आशा, कितल्यो अपेक्षा, कितल्यो यादी, कितल्यो आठवणी ह्या दोन घडणुकांमदीं घुस्पून उरपाच्यो. चड करून जमनीर आनी दर्यार कितली गडबड, कितलो बोवाळ, कितली धांवपळ, कितली हालचाल उप्रासपाची.

मोगऱ्याच्या आवय बापायन लग्नाखातीर बेळगांवसावन रेस्मी आनी दामाश्काचीं वस्त्रां हाडपाक लायिल्लीं. वसय आनी सिलोनासावन तांणी मोतयां आनी वज्रांमाणकां हाडूंक लायिल्लीं. पर्शियासाव तांणी फळां, थिकां आनी गालिचे हाडूंक लायिल्ले. शेजारच्या गांवांतल्या कलवंतांक आनी वाजत्र्यांक तांणी तयार रावपाक सांगणें धाडिल्लें. आठ दीस चलपाच्या ह्या लग्न समारंभावेळार दर राती फोग लावप आनी दिव्या पणत्यांनी कशी रोशणायी करप हाचो आराखडो तयार आशिल्लो. सगळेजाण खोशयेन हांसताले आनी लग्न समारंभ बरे तरेन पार पडटलो हे उमेदीन भुरकुटून गेल्ले.

हाका अपवाद आशिल्लो तो फक्त मोगऱ्याचो. तें सदाकाळ गंभीर आनी विचारांत घुस्पल्लेवरी दिसतालें. चुकून माखून ताच्या तोंडार हांशें दिसतालें. पूण तें हांशें आपलीं सपनां खरीं थारतलीं म्हूण खोशी जाल्ले कुमारेचें आशिल्लें कांय बळी दिवंक ओडून व्हेल्ल्या असाहाय बायलेचे आशिल्लें?

जमनीवयल्या कोठारांतल्यान झुजाचे सामान, दारूगोळो आनी बराकींतल्यान सैनिकांक दर्यांत आशिल्ल्या तारवांमेरेन व्हरपाचें काम ल्हान ल्हान व्हडीं करताली. सकाळसावन दर्यातल्यान तांचें येवप–वचप चालूच आशिल्लें.

झुजाच्या सामानाची तारवांक जाय तितली पुरवण जावंची म्हूण खासा दों जुआंव द काश्त्र धक्यार रावन देखरेख करतालो. तेवटेन दर्यांत एका तारवार रावून दों फेर्नांद हें सामान आनी सैनीक तारवांचेर चडोवन घेतालो.

आपलें काम करता आसतना शिपायांमदीं तांच्या खाशेल्या थाटणेन उलोवणी जाताली. देखीक :

– तूं सामकोच तिरसो मरे! आनी तितलोच भिजूड! भयान आतांच तुजे कॅस उबे जाल्यात.

– च्ये! म्हजेकडेन दांतोणीय ना वा कातरय ना.

– तशें जाल्यार दिवांक पावतकीर तुगेल्या ह्या लांब कॅसांची वेणीच घालची पडटली.

– तेन्नाचें तेन्ना. आमी एकामेकाक खूब तेंपासावन वळखतां. तुकाच म्हूण सांगतां. नकलेर थापपाक पवित्र तेल ना मेळिल्ल्यान हांव मीठच थापत आयलां.

– तेखातीर बी तुजे दोळे तिरशे जावक ना मूं?

– हय नर. ताकाच लागून म्हज्या दोळ्यांच्यो मुंडल्यो पयसावल्यो. पूण एक मात खरें. हांव आनां चोंयकडेन पळोवंक शकतां.

– तशें जाल्यार शारामोंवतणी वणटी आसात जाल्यार सांग.

– बिलकूल ना. शारच वणटींमजगतीं आसा. आनी थंय चार वणटींभितर आसतकीर तूं कोणाकच भियेना. पूण तेंय सामकें खरें न्हय. डोलकाठयेर चडपी खलाशांवरी चपळ आशिल्ल्या जळारांक मात तूं थर्त भिता.

– हे खंये तारवाचो कापितांव मात सामको भुरगो आसा.

– हय. पूण तो थंय धक्यार रावन सगळेकडेन लक्ष दवरून आसा त्या बापायचो पूत.

– बरें खोड.

– बरो खांदो. तो एकाद्र्या कावाथ्यावरी दिसता.

– मोयरान ताका तोंडांत उडयल्यार तो दोन घांसां लेगीत पावचो ना. सामको कवळो...

– आसतय बी. पूण हरवें फळ जाल्यान तें खातल्याचें तोंड कोडू जालेबगर रावचेंना.

– ते भायर, हालींच ताणें एक व्हड पराक्रम केला. असलो पराक्रम हांव करूंक शकमाचों काय ना हें हांव नकळ. पूण ताणें केल्ली वागाची शिकार मात कोणच विसरूंक पावचोना.

– जो तरनाटो वागाची शिकार करता आनी चलयां फाटल्यान धांवता, तो फुडें कितें करतलो हें सांगपाक ज्योतिशाची गरज ना. जो भुरगो पुर्तुगालासावन हांगा पावता, तो हांगाचें वत लागनाफुडें तीन दिसांभितर भुरग्याचो दादलो जाताच जाता.

– तो मोगांत बी पडला हय?

– सामकोच पिसो मरे तूं! हांगा येतसावन तो कोणायकडेन तरी उलयल्लो तुवें पळेला? आनी ताजी नदर खंय आसा?

– तूं म्हणटा तें सामकें खरें.

– तो पळेता ते दिकेन मातसे तूंय पळे. मागीर ताजी नदर कोणाचेर आसा तें तुका कळटलें.

– तिरशा!

– श्शू! जर आंब्यांनी वर्सयभर आंबे दिले जाल्यार...

– लोक अजीर्ण जावन वळवळपाचे. दिवाक मात तुका असले आंबे मेळचेना.

– थंय हें सगळें मेळटलें. आनी दुस्मानांक वणटींचेर चिड्डून मारतकीर तांबड्या समुद्रांतल्यान वचून तांच्या विधवांचें सांत्वन करूंकय मेळटलें... आतां तूं तुगेले काम करतलो काय ह्या आंब्यांचे दिकेन पळेत रावतलो?

– खरें म्हळ्यार हांव तांबड्या समुद्राकडेनच पळेत राविल्लो.

– तशे जाल्यार थंयच्या मोयरांचें कितें जालें ते सांग पळोवया.

– हांव तारवात बसून दर्यांतल्यान वचूंक लागलो तरी तूं तांकां मारीत राविल्लो.

तिरशाक पोट फुंटस हांसो आयलो आनी मुळचेंच कुरूप आशिल्ले ताचें तोंड आनिकय कुरूप दिसूंक लागलें.

धक्यावयल्यान बऱ्यांतले बरे सामान तारवांचेर धाडून दितकीर दों जुआंव द काश्त्र थंयच आशिल्ल्या कांय जाणट्यां सैनिकांकडेन उलोवंक लागलो. ह्या सैनिकांच्या तोंडांचेर हुलपल्ल्याच्यो कुरू आनी खिणांचे तांबडे दाग आशिल्ले.

एक विचारमग्न आनी फिकट चेऱ्याचो पाद्री ह्या मनशांमदीं आशिल्लो. ताचें नांव आशिल्ले फ्रांसिश्क शावियेर.

– हांव तुमकां एकच सुचोवणी करतां, दों जुआंव सैनिकांक सांगतालो; जर मोयरांनी दीव जिंकलें जाल्यार तुमचेपैकीं कोणेच ही वायट खबर हांगा येवन म्हजे कानार घालूंक जायना. हांव तें परतें जिंकपाक थंय वतलो आनी तुमच्या अवशेशांचेर थडगें बांदूंक लावन ताचेर तुमचीं सगळ्यांची नांवां ताचेर कोत्रांवक लायतलो.

– आमीं मोयरांक केन्नासावन वळखतां. आमच्यो तोफो कसो येवकार दितात ते तांकां बरे खबर आसा. हें फेस्त बऱ्याच गडगडाटान जातलें. दों जुआंव द माश्कारेन्यश हो एक व्हडलो फिदाल्ग.

– तो पळे आमचो कापितांव. तारवार रावून तो आल्फांदाकडल्या झाडांवटयां पळेत रावला. ताका मात मोयर अजून सारके वळखनात.

– ताजें लग्न आमी मोळ्या दबाजान करूंया. हे मोहिमेर वचपी लोकांमदी तो एकटोच आंकवार चलो.

– पिशांनो, तुमी हें किते उलयतात?

– ताजें लग्न जातलेंच जातलें. इतलेंच आमचें म्हणणें. दिवाक पावतकीर खंयचो सैनिक आयजमेरेन आंकवार उरला?

– थंय ताज्या पदरांत एकाद्री जाणटेलीच बायल पडटली. घडये ती विसांपरसय चड जाणांची विधवा आसूंये. थंय आंकवार आनी कुंवारी चलयो मात वखदाकलेगीत मेळच्योना. हांगासावन थंय गेल्ल्यो चलयो लेगीत आंकवार उरनात.

– आमच्यो बायलो मान थंय दर्यावटेन नदर लावन आनी वणटींचेर तकल्यो तेंकोवन, मोन्यानी आमची वाट पळेत रावल्यात... बायलांनो, रावात; आमी रोकडेच भायर सरतात. आमचे बरावर ही दारू आनी शिशेंय घेवन येतां. संसार काबार करून उडोवपाइतलो दारू गोळो घेवन येतां.

– भुकेन तुका अजीर्ण जातलें.

– तुमचो कोणाचोच अपमान करपाचो म्हजो हेतू ना. पूण आमचेभितर तोच सगळ्यापरस देखणो आशिल्ल्यान वागीण ताच्याच गळ्यांत माळ घालतली हांतूंत दुबाव ना.

– हय तर! थंयच्या सगळ्या बायलांमदी तीच तर सगळ्यांत जाणटी आनी सगळ्यांत बरी गाणारी बायल.

दों जुआंव द काश्त्रान आपले शेजरा आशिल्ल्या पाद्रीक म्हळें,

– पाद्री फ्रांसिश्क, तुमी चिंतेस्त दिसतात.

– म्हाका फाटले उगडास येतात, सिन्योर. हांव जर हांचेवांगडा हे मोहिमेचेर दिवाक गेल्लो जाल्यार थंय हांव किदें करपाचों?

– तुमी म्हात्मे, देवाचे मनीस! थंयच्या लोकांक खऱ्या धर्माची दिक्षा दिवपाचें काम तुमी थंय करतलेंच आसले. मोयगांच्या चालीरिती आमचेपरस वेगळ्यो. हांव तांका भरपूर वळखतां. म्हाकाय बी फाटले उगडास येत रावल्यात अशें हांवें सांगल्यार, तुमी फट मानचेनात मूं? विसेरेयन पाद्री फ्रांसिश्क शावियेराच्या कानांत सांगलें.

दिवाक एक पोन्नी तोफ आसा. तिजेर ही उतरां कांत्रायल्लीं आसात : – हांव पराक्रमी वाग. जंय म्हाका धाडटात थंय हांव पावतांच.

मध्यानरात जावन बरोच वगत जाल्लो. कुंभारजुवेंच्या रस्त्याकुशीच्या कोंड्या रानांत एक मोग्यांची जोडी रडतरडत एकामेकाचो निरोप घेताली.

– म्हज्या मोगाच्या मोगऱ्या, हांव परतो येसर तूं म्हजी वाट पळेतलें मूं?, दों फेर्नांदान मोगऱ्याक विचारलें. ताज्या दोळ्यांतल्यान व्हांवत राविल्लीं दुकां मोगऱ्याच्या सुवासीक केंसांचेर अभिशेक करीत राविल्लीं.

– रावतलें तर. हें आनीक सांगूंक जाय? पूण तुका थंय मर्ण आयल्यार हांवूय हांगा मरतलें.

तांचीं उलोवणीं जाल्लीं तांतलीं ही निमाणीं उतरां. तांतल्यान तांच्या दुखेस्त काळजांतलीं चिंता स्पश्ट परगट जाताली.

कांय मिनटांउपरांत दों फेर्नांद गोंय शारावटेन वचपाक भायर सरलो. ताका कोणाच्या तरी पावलांचो आवाज आयकूंक आयलो. तो थांबलो. पाद्री फ्रांसिश्क शावियेर आपले म्हऱ्यांत येता तो ताका दिसलो.

दों फेर्नांदान जमनीर दिमी मारली. पाद्रीच्या आंगार आशिल्ल्या लोबाच्या टोंकाचो ताणें उमो घेतलो आनी म्हळें : "पातीव, म्हजें काळीज हे थंय उरलां! म्हाका भोगसात आनी म्हजेर तुमचें बेंसांव घालात. म्हजो ते चलयेचेर मोग आसा. ती हिंदू हें खरें. पूण आमचो देव विशाल अंतस्करणाचो आसा. हांवें झुजांत यश जोडचें आनी म्हजेकडल्यान म्हज्या बापायक लज दिसपासारकें कसलेंच काम घडचें न्हय अशें तुमकां दिसता जाल्यार तुमी म्हाका एक वचन दियात. म्हजे प्रेयसीचेर तुमचें लक्ष आसतलें, तुमचो आदार तिचे फाटल्यान आसतलो म्हूण म्हाका वचन दियात!"

– पुता, उठ आनी निश्चिंत मनात वच. देवाच्या सेवकाचेर तुजो विस्वास दवर.

तेच रातीं पलासींतल्या सालांत आपलो निरोप घेवंक आयिल्ल्या आनी दों फेर्नांदावांगडा तारवार वचपी एका सैनिकाच्या गटाक दों जुआंव द काश्त्रान म्हळें : "हांगासरल्या बंदखणींतल्या दुस्मानांक मेकळे करून तांचे बदला तुमचेसारक्या सैनिकांचे स्वातंत्र्य परत मेळोवन घेवपांत म्हाका सदांच खोस भोगतली!"

दों फेर्नांदाक ताणें सांगलें : "दिवाक आशिल्ल्या आमच्या लोकांचे मदतीक तुज्या हाताखाला हें सैन्य हांव धाडटां. तुज्या घराण्याचें नांव राखपासारकी करणी करून दाखय. जल्मान सगळेच मनीस सारके असतात. पूण आपल्या कर्तृत्वान तांतले कांय जाण आपलें वेगळेपण दाखयतात. तुमचेपैकी जो चड पराक्रम गाजोवन दाखयतलो ताका हांव म्हजो पूत मानतलों."

दों फेर्नांदान बापायच्या हाताचो उमो घेतलो. आनी तो भायर सरलो. केन्नाच परतो ना येवपाक.

(७)

पावसाळ्याचे दीस आशिल्ले. गोंयभ मुसळधार पावस पडत आशिल्लो. सोसाट्याच्या

वाऱ्यांक लागून आग्वादा लागचें मांडवी न्हंयेचे तोंड तारवांच्या येरादारीक बंद जाल्लें. हिंदी म्हासागरांत वाऱ्याचो आनी ल्हारांचो अच्छेव दिसरात चालू आशिल्लो. ताका लागून उत्तरेसावन कसल्योच खबरो गोंयां पावनाशिल्ल्यो.

अशे परिस्थितीत, दर्या खुबळिल्लो आसून लेगीत दों आल्वरू द काश्त्र आपले वांगडा खूबशा सैनिकांनी आनी खुबशा दारूगुळ्यांनी भरिल्ली तारवां घेवन गोंयच्यान दिवाक वचपाक भायर सरिल्लो. आपूण दिवाक वतां तो थंय सोंपिल्ल्या आपल्या मावाच्या मर्णाचो सूड उगोवंक वतां, हें मात बाबड्याक खबर नाशिल्लें.

हेवटेन दों आल्वराची तारवां दिवादिकेन वाटचाल करताली जाल्यार तेवटेन पुर्तुगेज सैनीक दिवाक भर पावसाळ्यांत पावसवाऱ्यांची मातय पर्वा करिनासतना निर्धारान लडत राविल्ले. पुर्विल्ले मुस्तीत ग्रीक सैनिकांनी असोच निर्धार दाखोवन त्रॉय (प्रियाम राजाची राजधानी) जिखून 'इलियद' घडयल्ले. दिवांतले पुर्तुगेज सैनीक थंय नव्यान 'इनियद' घडोवन आपूण धाडस, सोशिकपण आनी पराक्रम ह्या गुणांनी पूर्विल्ल्या ग्रीक सैनिकांपरस मातय उणे ना, हें संवसाराक दाखोवन दिताले.

दों आल्वराचेर सोंपयिल्ली कामगिरी बरीच कठीण आशिल्ली. भर पावसाळ्याचे दीस आशिल्ल्यान मळब काळ्या कुपांनी गच्च भरताले. दर्यात इतलो काळोख पातळतालो की लागसारचें लेगीत दिश्टी पडनाशिल्लें. नेटान पडणाऱ्या पावसाक वेगान व्हांवणाऱ्या वाऱ्याची साथ मेळिल्ल्यान तारवांचेर पावसाच्यो दडको आपडून चाबूक मारिल्लेबरी सपसप आवाज जायत राविल्लो.

वेगवेगळ्या दिकांनी व्हांवपी वारे एकमेकांचेर आपटल्यान तारवां नेटान हालताली, डोलताली, घुवताली, उबताली, आपटताली आनी बुडटा काय उरता अशीं जाताली. ह्या सगळ्या संकश्टांची पर्वा करिनासतना दों आल्वरू आपल्या तारवांसयत दिवाकडेन वचतच राविल्लो. निमाणें तो दिवाक पावलो. आपल्या ह्या असामान्य कर्तृत्वान ताणें नव्यान 'ओदिस्सेय' घडयलें.

पावसाच्या दिसांनी हिंदुस्तानांत खुबदां बुडट्यो, म्हापूर येतात. ताका लागून हांगाचे लोक त्या ऋतूंत हुसक्यान दीस काडटात.

गच्च भरिल्ल्या काळ्या कुपाक लागून मळब काळें काळें दिसतालें. पूण हुसक्यान पोखरलेलें दों जुआंवाचें काळीज त्या मळबापरसय काळें जाल्लें आसूक जाय.

पावसाचो जोर कमी जातकीर दों जुआंवाच्या मनांत सैन्यवांगडा घेवन आपणें दिवाच्या अजिंक्य किल्ल्याचेर मदत करपाक वचचें अशें आयलें. इतल्यात गोंय शारांत दिवाचो किल्लो दुस्मानांच्या ताब्यांत पडला म्हणपाची संदिग्ध खबर पावली. दों जुआंवान हांसते तोंडान ती खबर आयकली. आपल्या काळजांतलें दुःख हेरांमुखार

उक्तें जावचें न्हय म्हूण तो सामको जपतालो.

पावसाळो सोंपून दर्या निवळटकीर आशा आनी उमेद वाडोवपी खबरो येवंक लागल्यो. पुर्तुगालासावन आयिल्लें एक तारूं मांडवी न्हंयेच्या पात्रांत भितर सरता तें दिश्टी पडलें. दों मानयुएल दलीम हो त्या तारवाचो कापितांव आशिल्लो. ताच्या हाताखाला आशिल्लीं आनीक पांच तारवांय फाटोफाट गोंयांत पावलीं. दिवाच्या सैनिकांनी अजून आपलो प्रतिकार चालू दवरल्यार पुरो!... दों जुआंवाच्या मनांत विचार आयलो. इतले म्हणसर मांडवी न्हंयेच्या तोंडालागसार आल्वरूच्या फुडारपणाखाला आशिल्लें तारूं पावलें. तें तारूं बावट्या गुड्यांनी सजयिल्लें आनी ताचेवयल्यान आयकूंक येवपी तोफांचे आवाज लोकांक पुर्तुगेजांनी दिवाक मेळयल्ल्या जैताची बरी खबर परगटायताले.

तोफांचे आवाज आयकनाफुडें लोक न्हंयेकडेन धांवत सुटले. मांडवी न्हंयेच्यो दोनय देगो लोकांनी गच्च भरून गेल्यो. ही बरी खबर घेवन आयिल्लें आनी तोफांच्या गडगडाटान ती लोकांमेरेन पावयणारें तारूं पळोवपाक हो सगळो लोक थंय एकठांय जाल्लो.

जेन्ना तारवाचो कापितांव पलासींत पावलो तेन्ना विसेरेयवांगडा बिश्प दों जुआंव द आल्बुकेर्क आनी फ्रांसिश्कान पंथाचो मुखेली, फ्रेय आंतोन द काझाल हे दोगजाण आशिल्ले. ताका पळेनाफुडें विसरेयन सगळ्यांत पयलीं प्रस्न केलो तो असो : दिवाचो किल्लो अजून म्हज्या धनयाचोच, म्हज्या राजाचोच उरला मूं?

– अजून तो आमच्या राजाजोच आसा आनी फुडेंय उरतलो, कापितांवान जाप दिली.

ही खबर आयकनाफुडें विसरेयेन दिमी मारली, नदर मळबावटेन फिरयली आनी देवाचे उपकार मानले. ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकांच्यो धारो व्हांवताल्यो. देवाविशींची उपाट कृतज्ञताय आनी आपल्या राजाविशींची अपार निश्टा त्या दुकांतल्यान परगट जाताली. कापितांवान हाडिल्लीं पत्रां फोडटकीर ताका आपलो पूत दों फेर्नांद हाका दिवाक जाल्ल्या झुजांत मर्ण आयिल्ल्याची दुखेस्त खबर समजली. पूण ताणे मोठ्या कश्टान संयम राखलो आनी आपल्यो भावना आपल्या तोंडार परगटूंक दिल्योना. वा आपल्या उतरांतल्यान आपलें दुःख थंय आशिल्ल्यांक उकतें करून दाखयलेंना. आपल्या देहांत हेर मनशावरींच भावनाप्रधान काळीज आसा आनी आपल्या पुताच्या अकाली मर्णान आपूण सामको खचून गेलां, हें हेरांक समजप म्हळ्यार विसेरेयच्या उच्च पदाक उणेपण हाडप अशें तो समजतालो जावये. कापितांवांक ताणें शाबासकी दिली, ताचे आभार मानले आनी शारांतल्या लोकांक ही खुशखबर कळोवपाची

कामगिरी ताचेर सोंपयली. सालांतल्यान तो थेट आपले कुडींत गेलो. आतां तो एक विसेंरेय नाशिल्लो. तो एक बापूर आशिल्लो. आपल्या पुताच्या आकस्मीक मर्णान खचिल्लो एक बापूय आशिल्लो. ताणें आपलें दुःख काळजांतच चेपून दवरिल्ल्यान तें तुट्टा काय फुट्टा अशें जाल्लें. ताचो जीव सामको कासावीस जालो. काळजात भरिल्ल्या दुःखाक दुकांच्या रूपान दोळ्यांतल्यान भायर सरपाक जेन्ना वाट मेळ्ळी तेन्नाच ताचो जीव जाग्यार पडलो.

दिवाक मेळयिल्ल्या जैतानिमतान देवाचे उपकार आठोवपाखातीर दुसऱ्या दिसा गोंय शारांत एक व्हडलें पुरसांव भायर सरलें. आपल्या पुताच्या मर्णाचें दुःख कुशीक दवरून विसेंरेयान शेंदुरी रंगाचो भेस घालून ह्या पुरसावांत वांटो घेतिल्लो.

(८)

गोंय शारांतला धक्याकडलो वाठार लोकांनी गच्च भरिल्लो. कांय हिंदु चलयो एका आंब्याचे सावळेंत उब्यो राविल्ल्यो. तांतूंत मोगऱ्याचे कळयेसारकें सोबिवंत दिसपी मोगरेंय आशिल्ले. दिवाक मेळयिल्ल्या जैताची खबर घेवन आयिल्लें तारूं दिसूंक लागनाफुडें सगळो लोक आनंदान नाचूंक लागलो. तांच्या तोंडातल्यान हर्षोद्गार भायर सरूंक लागले. पूण हाका अपवाद आशिल्लो तो एकट्या मोगऱ्याचो. हेरांभाशेन आपणेंय खुशयेन बडबडचें, नाचचें अशें ताका दिसतालें. पूण त्या तारवाक पळेनाफुडें ताका तें एक थडगेंय आशिल्लेवरी भास जावन ताचें रगत गोठेवन तें थर्वेफुल्ल जालें. दों फेर्नांदाच्या हुस्कयान ताजें काळीज कलकलून गेलें.

तारवावयल्या खलाशांनी शिडां गुळ्ळायलीं. तारवाचो वेग कमी जायनाफुडें तांणी उदकांत नांगर सोडलो. तारूं थांबनाफुडें तांच्या भोंवतणी व्हड्यां-पनेलांची गर्दी जाली. तारवांतल्यान सैनीक व्हड्या पनेळांनी देवूंक लागले. तांकां घेवन व्हडी पनेळ धक्याकडेन येवंक लागले. तीं धक्याक लागनाफुडें भितल्ले सैनीक उमेदीन धक्यार चडूंक लागले. धक्यालागसार उबे आशिल्ल्या लोकांनी एका आवाजान तांका येवकार दिलो. हो प्रकार बरोच वेळ घडत रावलो. सगळो लोक उमेदीन हांसतालो. पूण मोगरे मात अस्वस्थ जावन निर्शेवन गेल्ले. आपलें काळीज फुंटून ताचे कुडके जायत रावल्यात अशें ताका दिसतालें.

तारवावयले चडशे सैनीक धक्यार पाविल्ले. जे थोडे थंय उरिल्ले तांकां हाडपाक गेल्ली व्हडी तांकां घेवन धक्यावटेन येवंक लागिल्ली. पूण ती व्हडी धक्याक नेंकसर थंय रावन आपणाक जाय तें पळोवचें सोडून मोगरें धांवप सुटलें.

एक जुवान भट लागसारक रावून मोगऱ्याक सगळो वेळ तेळीत राविल्लो. मोगरें धांवूंक लागलो. एका गच्च रानांत ताणें ताका गांठलें आनी सांगलें :

– मोगऱ्या, हांव तुजेर मोग करतां. तुका हें खबर ना?

मोगरें थंयच उबें रावलें. पयलींच फिकट जाल्लें. ताचें तोंड आनिकय फिकट जाल्लें. पूण ताचे दोळे इंगळ्यांवरी तांबडे जाल्ले. शांतपणान पूण धिटायेन ताणें जाप दिली :

– म्हाका खबर नाशिल्लें.

– पूण म्हाका तुजेविशीं सगळें खबर आसा. म्हजें काळीज आनी म्हजे दोळे दिसरात तुजेवांगडा हिंडटात. फाटले दिसांनी जेन्ना तुमच्या बागेंत रातचें तूं दों फेर्नांदाक मेळपाक वतालें तेन्ना बागेंतल्यान एक मनशाची आकृती बागेत फिरताली तें तुज्या लक्षांत आयलांच आसतलें.

– हय. म्हाका तसो दुबाव मारिल्लो.

– ती आकृती म्हजी आशिल्ली. हजार वेळां म्हज्या मनांत त्या मिसरूड फुटूंक नाशिल्ल्या चोरट्याक जिवो मारून उडोवचेंशे आयलें. ह्या देसांत हिंसक जनावरां जळींमळीं पातळ्ळ्यांत हाचो ताका विसर पडिल्लो आसतलो.

– तसल्या जनावरांक तो फारान मारपाचो.

– आनी मागीर तूं ताज्या गळ्यांत पडून ताजे उपकार मानपाचें आनी तुजो मोग उक्तावपाचें.

– हें आनी सांगूंक जाय?

– मोगऱ्या, हांव तुजो मोग करतां. म्हजो असो तिरस्कार किद्याक करता? तुज्या नवऱ्याक आनी बापायक हांव किदें जाणां तें खबर ना. म्हज्यान तांकां तूं सांगूं येता. तूं म्हाका वश जा. मागीर हांव तुज्या थारिल्ल्या लग्नाच्या आड येवचोंना.

– चांडाळ! दोळ्यांतल्यान उज़ो ओंकीत मोगरें आड्डलें.

– दिवासावन तुका सोडोवंक कोण येवंचोना. दों फेर्नांद मर्ण पावलां.

हीं उतरां आयकनाफुडें मोगऱ्याचेर मळबांतल्यान वीज कोसळ्ळ्यावरीं जालें. ताज्या दोळ्यांतल्यान उजाच्यो किटी भायर सरिल्लेवरी दिसूंक लागल्यो आनी ताचें तोंड रागान आनी तिरस्कारान इतलें भिरांकूळ दिसूंक लागलें कीं विजेचो धक्को लागिल्लेवरीं भट घुंवळ येवन जमनीर पडलो.

बऱ्या वेळान शुध्दीर येतकीर आपणाक सपन पडलां आसुंये अशें ताणें येवजिलें.

पूण तें सपन नाशिल्लें हाची जाण येनाफुडें तो मोगऱ्याच्या घरावटेन धांवत सुटलो. कितें घडलें तेविशीं मौन राखपाक मोगऱ्याक तयार करून आपली बदनामी टाळची आनी ह्या कामाक तें तयार जालेंना जाल्यार ताका बदनाम करून आपली कात वांचोवची असो ताजो डाव आशिल्लो. मोगरें आपणाक मेळ्ळेंना जाल्यार ना मेळूं तें

दुसऱ्यांकय मेळूंक पावचेंना अशी मांडणी करून तो ताजो सूड उगोवंक सोदतालो.

मोगरें आपल्या घरासामकारच्या पावलां ते ताका दिसलें. ताणें व्हडल्यान ताका उले मारले. ताचे उले आयकनाफुडें पयलींच भ्रमीश्ट जाल्ले मोगरें सामकें पिसावलेवरी जालें. आपूण तर मरतलेंच पूण ते पयलीं भटान केल्ल्या अपमानाचो बदलो घेवंचो अशें येवजून तें 'धांवात! धांवात! म्हाका वांचा यात!' अशें आड्डत आड्डत घराकडेन धांवलें. घराच्या दारांत पावनाफुडें तें तोल वचून पडपाचें. पूण ताज्या नवऱ्यान आनी बापायन ताका आपल्या हाताचो आदार दिवन सांबाळ्ळें.

-- मोगऱ्या, किदें घडला? किद्याक लागून तूं अशें विद्रूप दिसता आनी थरथरता? त्या दोगांयनी मोगऱ्याक विचारलें.

-- होनो दळदिरो भट म्हजे फाटल्यान लागला. मांडवीच्या देगेसावन तो म्हजे फाटल्यान येत रावला.

मोगऱ्याच्या तोंडांतलीं उतरां आयकनाफुडें ताज्या नवऱ्यान आपल्या हातांतलो सुरो भटाच्या पोटाचेर तेंकयलो. जिवाच्या आकांतान भट आड्डलो :

-- फट! सामकें फट! दों फेर्नांद द काश्त्रान आदींच उश्टायल्लें तुगेलें तोंड तुज्या नवऱ्याक दिवन ताका भश्टांवनाका, इतलेंच हांवें तुजेकडेन मागिल्लें.

मोगऱ्यान आपल्या बामण कुळाचे अब्रूक काळे फांशिल्ल्यान आपणाक समाजांत तोंड लेगीत दाखोंवपाक सुवात उरचीना ह्या भयान मोगऱ्याचे बापायक कांपरे सुटलें. लजेन ताची आनी मोगऱ्याच्या नवऱ्याची मान बागवली आनी नदर जमनीकडेन वळली. हाचे उरफाटें मोगऱ्याची मान अभिमानान वयर सरली आनी नदर मळबावटेन थिरावली. मळबांतल्यान आपल्या मोग्याची सावळी आपणाकडेन पळेता आनी आपणाक सांगता : 'पळेलें, हांव तुजेर कितलो मोग करतान तें; तुका दिल्ले वचन हांवें कशें पाळ्ळें तें.'

– 'तुवें मोगऱ्याची ब्रेअब्रू केली?' मोगऱ्याच्या नवऱ्यान तिडकीन भटाक म्हळें आनी ताका आपल्या थोंपरांपोंदा चिरड्डिलो.

-- ना. ताणें खरें तेंच सांगलां. हांवें दों फेर्नांदाचेर मोग केलो. तो जिवो आसतना हांव ताजेंच आशिल्लें. आतां ताच्या मर्णाउपरांतय हांव ताजेंच उरतलें. उपकार करून तो सुरो म्हज्या काळजांत खुपस. देव तुजें बरें करू! मोगऱ्यान नवऱ्याक पळोवन म्हळें.

उपरांत ताणें आपली नदर परत एक फावट मळबावटेन फिरयली आनी तें उबें रावलें. खिणांत घुंवळ येवन ते जमनीर कोसळ्ळें. हे खेपे ताका आदार दिवपाक ताच्या बापायचे वा नवऱ्याचे हात धजलेंना.

रातची ताका शुद्ध येतकीर तें घरांत भितर सरलें. घरांत कोणच नाशिल्लो. आपले

कुडींत वचून ताणें आपल्या हाताक सांपडटा ते दागिने वांगडा घेतले आनी रस्त्यार येवन ते न्हंयेदिकेन वचपाक लागलें. न्हंयेदेगेर पावतकीर ताका आपलो पनेळ बांदून दवरिल्लो दिसलो. त्या पनेळांत बसून ताणें कालव्यांतल्यान कितल्योशोच सहली क्ल्यो. पनेळाची दोरी सोडोवन ताणें तो पनेळ मेकळो केलो. दोरी हातांत घट्ट धरून तें त्या पनेळांत वचून बसलें. पनेळाचें तोंड ताणें कालव्यावटेन फिरयलें. आपली नदर आपल्या घरादिकेन फिरोवन ताणें आपल्या घराचो आनी तांतल्या मनशांचो निमाणचो निरोप घेतलो. ताचें काळीज भरून आयिल्लें आनी दोळ्यांतल्यान दुकांच्यो धारो व्हांवताल्यो. घडये तीं दुकां फाटल्या मोगाळ यादींनी आयिल्लीं जावये वा आपणाक लागून आपल्या घरच्यांक कितलो त्रास भोगचो पडटलो ह्या विचारान आयिल्लीं जावये!

मोट्या कश्टान ताणें आपणाक सांवरलें. दोळ्यांतलीं दुकां पुसलीं आनी वल्हें हातान उबारून तें पनेळ तांडूंक लागलें, जे सुवातेर कांय म्हयन्यांआदीं त्या दोन अभागी मोग्यांनी आपले प्राण वगडायल्ले ते सुवातेर ताका वचपाचें आशिल्लें. उदकाचो लोटय तेच दिकेन व्हांवत आशिल्ल्यान थंय पावपाक ताका चड वेळ लागलोना.

पनेळाची दोरी देगेवयल्या झाडाच्या एका पाळाक बांदून दवरतकीर तें थडग्यादिकेन वचूंक लागलें. पावसान मातिल्ल्या तणाक आनी झाडांवेलींक लागून तें थडगें लिपून गेल्लें. भोंवतणचे तण आनी वेली ताणें हुमटावन उडयल्यो. उप्रांत थडग्याकुशीक तें जमनीर बसलें. आपले धड थडग्याक तेंकोवन तें रडूंक लागलें. रडटां रडटां ताणें आपले हात जोडले आनी त्या मोग्यांखातीर देवाची प्रार्थना केली. उपरांत ताणें ल्हव आनी रडकुळ्या आवाजांत म्हळें :

"म्हजे भयणी! आमी दोगांय बामणा कुळांत जल्मल्ल्यान हे भोग आमच्या नशिबांत आयल्यात! म्हज्या नशिबाची कर्मकाणी आनी म्हज्या काळजाची शौर्यगाथा तुका सांगपाखातीर हांव मुजरत हांगा आयलां. ती आयकतकीर हांव तुजी धाकटी भयण सोबतां अशें तुका दिसलेबगर रावचेंना."

"तुज्या मोग्यावरी म्हज्याय मोग्याक हिंसक सावदांकडल्यान मर्ण आयलें. तुजेवरी हांवेंय एका नागाक माड्डून ताचेकडल्यान दंश करून घेतलो. पूण हांव खऱ्यानीच फुटक्या नशिबाचें! तुजेवरी आपल्या मोग्याक वेंगांत घेवन ताचे उमे घेत घेत मर्णाक वेंग मारपाचें भाग्य मात म्हाका लाबलेंना!"

तुका तात्काळ मर्ण आयलें. म्हजें मर्ण मुयेपावलान येतलें. म्हजो जीव तानेन तळमळलेबगर आनी भुकेन वळवळलेबगर मर्ण लेगीत म्हाका लागीं करचेंना. पूण

ताची पर्वा ना. हांव मरतलें तें म्हज्या मोग्याखातीर. हांतूंतच म्हाका सुख आसा.

खरें म्हळ्यार बायलांत आनी गुलामांत इल्लोय फरक ना. गुलामगिरीचें दुसरें नांव बायलपण. आमी दोगांयनी ह्या गुलामगिरीच्यो बेडयो तोडपाक सोदल्यो.

फक्त तूंच एकटी म्हाका समजूंक शकता. म्हाका क्षमा करूंक शकता. म्हजी कर्मकाणी तुज्या कानार घालची आनी तुजे मायेचे सावळेंत आलाशिरो सोदचो म्हूण हांव हांगा आयलां.

सुर्याची नदर म्हजेर पडचे पयलीं हांव रानांत वचून लिपतलें. म्हजे इश्टिणी, म्हजे सांगातिणी, म्हजे भयणी, येतां तर हांव!

हुडक्या हुडक्यांनी रडत रडत ताणे त्या थडग्याक वेंग मारली आनी ताचे उमे घेतले.

थोड्या वेळान नागेलो पनेळ कालव्यांतल्यान उत्तरेकडेन वचूंक लागलो. कुंभारजुवेंची गानां आनी भाटां फाटीं पडलीं. चोडणेच्या जुंव्याक वळसो घालून ताजो पनेळ तिर्थावटेन वचूंक लागलो. ह्या तिर्थादिगेर हिंदूंची मसूड आशिल्ली.

तिर्थादिगेर पावतकीर ताणें जमनीर उडी मारली. हातांतल्या वल्ह्यान ताणें पनेळ तिर्था उदकांत धुकल्लो. आतां सुकती आयिल्ल्यान तो पनेळ उदका लोटावांगडा मांडवी न्हंयेंत दिकून अस्तंतेवटेन वचूंक लागलो. चंद्र मावळूंक लागिल्लो. नक्षत्रां फिक्कट दिसूंक लागिल्लीं. त्या मंद उजवाडांत तो पनेळ पैस पैस व्हांवत वतालो. मोगरें त्या पनेळाकडेन पळेत रावलें. सुर्याच्या किर्णांनी चकचकूंक लागिल्ल्या उदकांत तो दिश्टी पडनासर पळेत रावलें.

ताच्या ल्हानशा जिवितांतल्यो किततेशोच म्होंवाळ यादी त्या पनेळांत घुस्पल्ल्यो. भुरगेपणांत ते जायते फावटी त्या पनेळांतल्यान फिरूंक वतालें. तांतूंत बसतकीर ताका पाळण्यांत बशिल्लेवरी दिसतालें. मांडवी न्हंयेचीं ल्हारां तो पाळणो हालयतालीं. मंद मंद व्हांवणारो वारो आपल्या मोरपिशी हातांनी ताका पोशेतालो. पक्षांचीं मजूळ गितां आनी व्हडेंकारांची मोगाळ कवनां ताजेखातीर आल्लय आळयतालीं. मायेच्या ह्या शिंवरान ताका बशिल्ले थंयच लकणी येवन तें गादयेर आड पडटालें आनी खिणाभितर न्हिदेचे सुवादीन जातालें. सपनांच्या आधीन जातालें. ताच्या तोंडार भुरग्याचें नितळ हांशें पातळतालें.

मनशाच्या जिवितांत भुरगेपणांतल्या सपनांचे आनी सुखांचे कांय प्रतिध्वनी आनी सुगंध सदकाल निगतात. जिवीतभर ते आमचो सांगात करतात. आमकां हांसयतात. आमकां रडयतात. कवीच्या स्वप्नविलासांत, मोग्यांच्या स्वर्गसुखांत, जाणट्या मनशांच एकसुर्याजिवितांत आनी बायलांच्या विसंगतपणांत आनी उतावळपणांत हे प्रतिध्वनी

आनी सुगंध दिश्टी पडटात. चड करून मळबाच्या प्रकाशमान पोकळेंत न्हंयांच्या विशाल पात्रांत आनी झाडांपेडांच्या रहस्यमय जाळ्यांनी ते दिसतातच दिसतात. तांचें सगळ्यांचें एकाच उतरान वर्णन करूं येता. तें उतर म्हळ्यार दु:ख. ह्या सगळ्या सुरांक दु:खाची झालर आसता.

दुर्दैवी बायल! एकटी! प्रचंड आनी उजाड मळा काळखांत शेणिल्ली! दुर्बळ, नि:शस्त्र, निराधार आनी निराश! मनशांमुखार अपमानीत आनी देवामुखार निराश्रीत! हलक्यांतल्या हलक्या मनशाच्या घराचे दार लेगीत तिका कायमचे बंद. वाटेंत मेळिल्ल्या मनशामुखार भिकेखातीर लेगीत हात फुडें करपाक मना. कोणाकडेन मदत लेगत मागपाक मना!...

आपलीं दुखां पळोवन, आपलो आवाज़ आयकून, आपूण आफडूंक येता तें पळोवन आपणाचेर उपाट माया करणारी आपली आवय लेगीत पयस धांवत सुटपाची! हेर बायलो आपल्या भुरग्यांक वांगडा घेवन ताका चुकोवन धांवत सुटपाच्यो, हें ताका खबर आशिल्लें.

हो संवसार आपणाखातीर एक प्रचंड वाळवंट थारपाचो आसा, समाजा बळयां फकत आपणाखातीर हें वाळवंट निर्मिलां आनी ह्या वाळवंटांत आपणाचेर नदर पडची न्हय म्हूण जतनाय घेवपी दोळे आसात, आपलो आवाज कानार पडचो न्हय म्हूण काळजी घेवपी कान आसात आनी आपणाक मदत करची पडत म्हूण आखुडपी हात आसात, हें ताका खबर आशिल्लें.

खंयच्याय गांवांत आपूण पावनाफुडें थंयच्या लोकांच्या तोंडावयलें हांशें ना जातलें, ते गायताले ती गितां अकस्मात थांबतलीं, जाणटेले आपल्यो तकल्यो लिपयतले, तरनाटे आपल्यो तकल्यो दुसरेवटेन फिरयतले, जुवान चलयो धांवत सुटूटल्यो आनी ल्हान भुरगीं भयान रडटलीं, हें ताका खबर आशिल्लें.

आपल्या प्रस्नाक कोणाचीच जाप मेळचीना, आपल्या दोळ्यांतल्या दुकांक कोणाचोच चुरचुरो लाबचोना, आपल्या दु:खान कोणाच्याच काळजांत काकुळट उप्रासचीना, आपल्या मड्याक कोणच जुळोवचोना वा पुरचोना आनी सगळ्या संवसाराक आपूण मरचें म्हूण उमळशीक आसा पूण आंपणाक मारून उडोवपाइतलो भूतदया ना, हेंय ताका खबर आशिल्लें.

ह्या शस्त्रविरयत बलिदानांत, अजाविरयत दहनांत, प्रतिकारविरयत झुजांत जीव वगडावपाचो प्रसंग ज्या मनशाचेर येता ताच्या काळजांत भिरांतीन एक प्रचंड वादळ उप्रासता आनी त्या वादळांत तो घुंवत रावता.

मनशाच्या सुखाच्या वेळार अनंताची प्रचिती येना. मनीस दु:खांत बुडून वतकीरच

नाजी साक्षात्कार जाता! हें कित्याक लागून घडटा?

(९)

पनेळ दर्या उदकांत शेणिल्लो. न्हिदेन लकणी आयिल्लो चंद्र क्षितिजासकल वचत राविल्लो. उदेंतेक उषा लजत लजत वयर सरताली. मोगरें तिर्थाचे उदकांत देंवलें, न्हानें. आंग पुसून जातकीर ताणें आपले केंस वळयले आनी आपले दागिने आंगार चडयले. इतले म्हणसर सूर्य घांटावयल्या दोंगरांफाटल्यान वयर सरलो. तांबडी साडी नेशिल्ले मोगरें गच्च रानांतल्यान आपली वाट चलत रावलें.

बोंजेजूच्या इगर्जेंत जैनाखातीर देवाचे उपकार आठोवपाक एक फेस्त जालें. त्या फेस्ताक गोवेर्नादोर हाजीर आशिल्लो. पूण इंदियेंतलो धर्मप्रसारक फ्रांसिश्क शावियेर मात त्या फेस्तावेळार थंय दिसलोना. जेन्ना दों जुआंव द काश्त्रान ताचेविशीं एका पाद्रीकडेन चवकशी केली, तेन्ना तो खंय गेला हे कोणच सांगूंक शकलोना. पूण इगर्जेच्या द्वारपालान मात आपणें आदले दिसा सांजवेळा ताका इगर्जेंत भितर सरिल्लो पळेल्लो म्हूण सांगलें. देवाची प्रार्थना करून जातकीर ताणें देवामुखार साष्टांग नमस्कार घालो. अल्ताराचेर दवरिल्ली पार्तिकुलां (निवेद्य) आनी इश्त्रेम उसंसांवाचें (मरचेलेवेळार मनशाक लावपाचें तेल) पेटूल वांगडा घेवन तो भायर सरिल्लो, अशेंय ताणें सांगलें, हेर पाद्रींनी ताका पळोवंक लेगीत नाशिल्लो.

फेस्ताक खूब लोक जमिल्लो. पूण सगळे जाण दु:खी दिसताले. सगळ्यांभितर गोवेर्नादोरूच तितलो खोशी दिसतालो.

(१०)

रानांत पावनकीर मोगऱ्याक आपूण सुरक्षीत सुवातेर पाविल्लेवरी दिसलें. एका मोळ्या पणसाच्या झाडाक तेंकून तें उबें रावलें आनी आपल्या फुडाराविशीं चिंतूंक लागलें. मरपाचें ताणें थारायल्लेंच. पूण कशें मरप? उदकाच्या लोटांत उडी मारून? काय कड्यावयल्या सकयल्या टोंकां आशिल्ल्या खडपांचेर घालून घेवन? काय अन्न खायनासतना मुये पावला येवपी मर्णाक वेंग मारून?

मरना आसतना जावपी तडफड, मर्ण येतलेंच काय ना हाचेविशीं दुबाव आनी मरना आसतना भोगणाऱ्या नानातरेच्या यातनांची भिरांत ताका भेश्टायताली. तरेतरेच्या देखाव्यांनी आनी भेश्टावन सोडपी विचारांनी त्या भोळ्याभाबड्या चलयेक सामकी उंचांबळावन सोडिल्लीं.

– हें सगळें घडपाचेंच आशिल्लें. तिणे आपल्याकच म्हळें : एका कावळ्यान म्हजे माथ्यार आपली पाखां आपटिल्लीं. हांव रस्त्यावयल्यान चलता आसतना दोन फावट नागान म्हजेसामकार रस्तो हुंपिल्लो. दुर्भाग्याचीं पावलां म्हजें दिकेन पडूंक लागल्यांत

हाची हीं स्पश्ट चिन्नां आशिल्लीं. पूण म्हज्या फुटक्या नशिबाक लागून हांवें तांची दखल लेगीत घेतलींना. संकश्टावेळार देवाची प्रार्थना केल्यार अरिश्टां पेल्यान सरतात खंय! पूण हांव खंयच्या देवाची म्हूण प्रार्थना करू? ...

ब्रह्मदेवा, तुवें म्हाका जल्माक घालतनां पावसा उदकाइतली निर्मळ आनी चंदनाइतली सुवासीक अशी निर्मिल्ली. पूण हांवें पातक्यान मात चिखलांत उडी मारून आंग म्हेळें केलें! तुजे नांव घेवपाक लेगीत हांव पात्र उरूंक ना!...

देवा विष्णू, तूं तर संवसाराचें रक्षण करपी! पालन–कुशीक तुजीं कांताय विसविल्ली आसता. पवित्र मोगाचें तुमी दोगांय मुर्तिमंत प्रतीक! हांवें मोग केलो म्हूण म्हजे नशिबांत हे भोग आयल्यात. म्हाका पळेल्यार तुका घडये म्हजी काकुळट येवं येताली. पूण म्हजेवटेन तुजी नदर फिरवप तुका शक्य ना. हांवें तुजेकडेन किदेंय मागल्यार तूं तें दितलोय आशिल्लो. पूण म्हाका तुजेंकडेन कांयच मागपाचें ना!...

हे शिवशंभो महादेवा, तुजो तिसरो दोळो उगडून तूं हो सगळो संवसार भस्म करूंक शकता. तो दोळो उगडून मातशी म्हजेर नदर मार!

हे महाकाली, महादेवाचे अर्धांगिनी, तुजी भुकेल्ली, तानेल्ली आनी वसवसलेली जीभ सदांच भायर दिसता. तुज्या एका हातांत चकचकपी तलवार आसता आनी दुसऱ्या हातांत एक रक्तबंबाळ मुंडके. तुज्या तोंडांतल्यान रक्ताची धार व्हांवता आनी तुज्या गळ्यांत तुवें मारिल्ल्या दैत्यांच्या मुंडक्यांची माळ आसता. हे महाकाली, म्हजेर तुजी नदर घाल आनी म्हाका तुज्या चारय हातांनी चिड्डून उडय आनी तुज्या पांयांमेरेन पावपी तुज्या मेकळ्या केंसांमदीं लिपय!

देवाकडेन मागपाचें आनीक कांयच ना उरिल्ल्यान तें वोगी रावलें आनी आयकूंक लागलें. सगळो वाठार किण्ण आशिल्लो. वाऱ्याची एकय झुळूक आयलीना. सवण्यांच्या पाखांची एकय फडफड आयकूंक आयलीना. झाडांचें एक लेगीत पान पडिल्ल्याचो आवाज आयलोना. रानांतल्या मोनेपणाचो मातय भंग जालोना.

तें एकटेंच आशिल्लें. संवसारांतल्या पयल्या मनशाइतलें एकटें आशिल्लें. संवसार बुडटेवेळार निमाणे बुडपी मनशाइतलें एकटें आशिल्लें. ताणें आपलेभोंवतणी नदर फिरयली. झाडवेलींनी रान इतलें गच्च भरिल्लें की सुर्याच्या किर्णांक तांच्या पानांमदीं चुकून उरिल्ल्या खांचींतल्यानच रानांत प्रवेश करपाक मेळटालो. ताका लागून रानांत धा पावलांपरस चड अंतरावयलें कांयच दिश्टी पडनाशिल्लें.

एकटेपण हें सदांच मनशाक भेश्टायत रावता. मोटीं मोटीं वाळवंटां हीं मनशाचो गर्व देंवोवपाचें एक उत्कृश्ट साधन. थंय व्हडांत व्हड मनशाक आपलें ल्हानपण होलमता. धिटांतल्या धीट मनशाक आपलें भितरेपण कळून येता.

तांतले तांतूंत एक बरी गजाल म्हळ्यार ह्या ओंसाड रेंवटांत लेगीत निरशेल्ल्या मनशाक एक आशेचो कीर्ण दिश्टी पडटा. तो शेणिल्लें वाळवंट केदेंय व्हड आसलें तरी ताचेकय कितलेशेंच व्हड अशें वयर पातळिल्लें मळब ताज्या शेणिल्ल्या मनाक आदार दिता. पयशिल्ल्या क्षितिजाकडल्यान कोणाची तरी मायेमोगाची नदर आपणाकडेन काकुळटीन पळेता, हो विचार ताच्या मनाक सुखायता.

वाळवंटांत शेणिल्ल्या मनशांक एक मेकळीक आसता. थंय ती जाय तितली धांवूंक शकतात, आड्डूक शकतात, मेकळ्या हवेंत स्वास उस्वास घेवंक शकतात.

पूण रानांत शेणिल्ल्या मनशांची परिस्थिती कितलीशीच अवघड आसता. वयर पातळिल्ल्या दाट झाडयेक लागून भितल्ल्या मनशाक मळब दिश्टी पडना. थंयच्या काळोखी वातावरणाक लागून ताका भय दिसूक लागता. थंय मेकळी हवा घोळनाशिल्ल्यान ताका घुस्मटलेवरी जाता. ताजो आवाज झाडांपेडांनीच घुस्पून उरता.

अशा ह्या रानांतल्या भयानक वातावरणांत एकमुळें सांपडलेलें मोगरें भयान धांवन सुटलें. आपणाक कसलो वा कोणाचो भय दिसलो हें मात ताका होलमलेंना. धांवतना काळखांत वाट चुकून तें आडवाटेवयल्यान धांवतालें. अटंग रानांत पावतालें. मूळ वाट सोडून कांडपांत घुस्पून उरतालें. हें धावपळींत ताज्या स्वासउस्वासाची आनी पावलांची गती दुप्पट जाली. आपल्या फाटल्यान कोणयतरी धावत रावला आनी पावलाकणकणी दोगायमदलें अंतर उणें जायत रावलां अशें ताका दिसूंक लागलें. म्हणटा म्हणसर कोणयतरी आपल्या केंसाक धरून आपणाक ओडटा आनी तेचवांगडा कांय मनशांचो बोवाळ आपल्या कानार पडटा अशें ताका दिसले. ताणें आपले दोळे धांकले आनी आपूण आतां मरतां अशें येवजून तें जमनीर कोसळ्ळें.

(११)

एका भुरग्याच्या रडपाचो आवाज कानार पडून मोगऱ्याक जाग आयली. रात जाल्ली. नक्षत्रां चकचकतालीं. हवेंत फुलांचो परमळ पातळिल्लो. मोगऱ्याक फाटल्या घडणुकांचो उगडास आयलो. आपूण भयान घुंवळ येवन पडिल्लें तें आतांच शुद्धीर येतां हें ताका कळ्ळें. परत ताच्या कानार तें भुरग्याचें रडप पडलें. बावड्याक आवय नासतली, कोणेयतरी ताका आदार दिवंक जाय अशें येवजून तें उबें रावंक वतालें. पूण कोणयतरी आपल्या केंसांक धरून ओडटा अशें ताका दिसलें. आता आपलें मर्ण तेंकलां अशें येवजून ताणें जमनीर दिमी मारली आनी आपल्या मानेर केन्ना शस्त्राचो घाय पडटा ताची तें वाट पळोवंक लागलें. पूण बरोच वेळ कांय घडलेंना म्हूण ताणें मान वयर करून पळेत जाल्यार आपले केंस एका कांटेरी झाडाच्या खादयाक घुस्पून उरल्यात हें ताका होलमलें. दु:खान ग्रासिल्ल्या ताज्या तोंडार हांशाची रेग उप्रासली.

इतले म्हणसर त्या भुरग्याचें आकांतान जाल्लें रडप आयकूंक आयिल्ल्यान तें तशेंच उठलें, आपले कैंस सोडयले आनी धांवत सुटलें.

धांवता धांवता गच्च रान फाटीं पडून तें एका मळार पावलें. मळार ल्हान ल्हान झाडां आशिल्लीं. रानांतल्या काळखांतल्यान तें मळावयल्या उजवाडाकडेन पाविल्लें. मळबांत शिंपडलेल्या नक्षत्रांनी चंद्रान विणिल्ल्या वस्त्राची सोबा वाडयल्ली. त्या देखाव्याकडेन पळेणाऱ्या मनशाक आपली नदर थंयची हालोवंचीशी दिसचें नाशिल्लें.

मातशें फुडें पावतकीर ताका एका तळी दिश्टी पडली. तळयेंतल्या शांत उदकांत नक्षत्रांची पडबिंबां चकचकतालीं. भुरग्याचें रडप थांबिल्लें. मोगरें आयकत रावलें. त्या वाठारांत मनशांची वस्ती नाशिल्ली. भुरग्याचें रडप आयकूंक येना जाल्ल्यान, ताचें उचांबळ जाल्लें मन शांत जालें. आपल्या भोंवतणचो वाठार तें निरखूंक लागलें. तळयेच्या पलतडी वांकड्या तिकड्या खडपांनी भरिल्लो एक ओसाड दोंगर ताचे नदरेक पडलो. त्या दोंगरार गुहोघोली असतल्योच आनी त्या घोलींनी वाग असतलेच, असो विचार ताज्या मनांत आयलो.

रडपाचो आवाज कानार पडिल्ल्यान ताज्या विचारांची माळ तुटली. हे खेपेचें रडप काळीज हालोवन सोडपी आशिल्ल्यान तें बेगीबेगीन ते दिकेन धांवलें. इतल्यांत रानाच्या शिमेकडल्यान तळयेकडेन वचपी मनशांच्या पावलांचो आवाज ताच्या कानार पडलो. तेचबरोबर रडपाचो आवाजय थांबलो. तळये देगेर आशिल्ल्या एका झोंपाआड तें लिपून रावलें. स जोगी ते तळये दिकेन येताले ते ताका दिसले. तांचे आंगार काश्टी सोडल्यार हेर वस्त्र नाशिल्लें. तांच्या उगड्या आंगांचेर तरेतरेची पानां आनी आंकडे चित्रायल्ले आशिल्ले. तांच्या कैंसांच्यो जटा वाडिल्ल्यो आनी खाडामिशांनी तांचीं तोंडां लिपून राविल्लीं. ताचेंमदल्या प्रत्येकान आपलो एक तरी अवयव मुद्दम अपंग वा विद्रूप केल्लो आशिल्लो. एकट्याचो एक हात वांकडो जाल्लो जाल्यार दुसऱ्याचे दोनय. तिसरो एक पांयार लंगडत चलतालो जाल्यार चवथ्याचो एक हात लोंबतालो. अशा ह्या भिरांकूळ दिसपी जोग्यांचो हो गट तळयेदिकेन वचत राविल्लो.

– शेवटीं पावले एकदांचे आमच्या गुहां लागीं, एका जोग्यान दुसऱ्याक म्हळें.

– मातशें तुज्या हातांनी म्हाका उदक पिवय पळोवया, दोनय हातांनी अपंग आशिल्ल्या जोग्यान एका पांयान लंगडपी जोग्याक म्हळें.

सगळेजाण तळयेदेगेर पावले.

लागसाराक आशिल्ल्या झिलींतल्यान एक मानगें अकस्मात भायर सरलें आनी ताणें लंगडो जोगी उदकांत हात बुडोवपाक बागिल्लो आसतना ताच्या पायाक धरून ताका उदकांत ओडून व्हेलो.

दोन देह वांगडाच उदकांत पडले. खिणांत दोगय जाण उदकांत दिसनाशे जाले. उदकाच्या पृश्टभागाचेर उप्रासलेली खबदळ भितर चलिल्ल्या भिरांकुळ वळवळीची तिव्रताय उक्तायताली.

मानग्यान जोग्याक उदकांत ओडिनाफुडें 'वांचयात, ताका वांचयात' अशें आडूडत मोगरें जोग्यांम्हऱ्यांत धांवत पावलें. मोगऱ्यान आपले दोनय हात वयर केल्ले. आकांतान ताजें तोंड वांकडें. विद्रूप जाल्लें. तरी लेगीत ते जोगी ताका वळखले आनी भूत देवचार देखिल्लेवरी गुहेदिकेन धांवप सुटले. धांवतनां ते जें गीत गायताले ताजो आवाज मोगऱ्या कानार पडटालो :

देवाची जेन्ना फिरता फाट
देवचार लायता मनशां वाट.
काळ्याकीट्ट फुडारा भय
मायेमोगाची आटयता न्हंय.
आवय, बापूय तशीच भावंडां
नदर पडल्यार फिरयतात तोंडां
पातक्यानो, गांव सोडात, रानात वचात.
तुमकां फावो सावदां सांगात.
घरच्या मनशाक मारात, खायात.
मावडावरी ढेंकर दियात.

नळये उदक परत शांत जाल्लें. मोगरें लेगीत मातशें थडावल्लें. पूण ताचें चित्त मात गोंदळ्ळेलेंच उरिल्लें.

(१२)

उरिल्ली रात मोगऱ्यान नळयच्या उदकाकडेन पळेत काडली. मदीं मदीं तें जोग्यानी म्हणिल्ल्या गिताचें एक कडवें घोळयतालें.

"पातक्यांनो, गांव सोडात, रानात वचात
तुमकां फावो सावदां सांगात"

आनी मागीर म्हणटालें : "रानांतल्या सावदांनो, जिवाण्यांनो, म्हाका सांगात करपाक तुमी हांगा कितयाक येनात?"

सूर्य दोंगरांफाटल्यान वयर सरूंक लागलो. सकाळ जाली. मोगरें तळयदगेर बशिल्लें आनी आपल्या हातांत एक झाडा खांदी घेवन ती उदकार मारीत राविल्लें. तोंडान तें म्हणत रावील्लें : "उदकातल्या मानग्यानो, म्हाका सांगात करपाक तुमी कित्याक येतात?"

वत खर जायनाफुडें, आपलें तोंड देवापसून लिपोवपाखातीर तें रानांत भितर सरलें आनी रानांतल्यान चलत रावलें. कालच्या दिसा घडिल्ल्या भयांकृत प्रसंगांचो विसर पडिल्लेवरी ताचें मन अलिप्त आशिल्लें. घडये ताचें मन भेरेल्लें आशिल्ल्यान वा वृत्तीच उदासीन जाल्ल्यान ही अलिप्तता आयिल्ली आसुंये. ताच्या पांयाकडल्यान एक जिवाणूं सरपटत गेलें. पूण तें मातय भिलेंना वा जाग्यावयल्यान हाललेंना. रानटी जनावरां येतालीं वतालीं. सावदां आरोळ्यो दितालीं. रानांतले पक्षी भयान किळंचताले. झाडांपेडांचे खांदे हालताले आनी पानां सळसळतालीं. सगळें वातावरण मनशाच्या आंगा कांटो फुलपासारकें आशिल्लें. पूण मोगऱ्याचेर ताचो कांयच परिणाम जालोना. ताजे स्नायू आनी मेंदू भेरेल्लेभशेन जाल्ल्यान काललेगीत दिसून येणारी तांची शिटुकसाण मातय परगट जायनाशिल्ली. आपल्या वाटेन तें फुडें वचत राविल्लें. तें मरणाक वेंग मारूंक वचनाशिल्लें. पूण मर्णान ताका वेंग मारल्यार तें फाटीं सरचेंनाशिल्लें. सांजवेळ जाल्ली. भुकेन आनी काडाबोडींनी तें थकून गेल्लें. दोंगरार जे सुवातेर तें उबें आशिल्लें थंयसावन दोंगराच्या मुळसाक वळसो घालून व्हांवपी न्हंय ताका दिसताली. सूर्य मावळतालो. क्षितिजाचेर तांबडो रंग पातळिल्लो. ती सोबा पळेत तें थंयच बसलें. आपल्या दुःखाचो लेगीत ताका विसर पडलो. घडये असली सोबा पळोवपाची ही म्हगेली निमाणचीच फावट, अशें येवजीत तें भानार आयलें आनी आपले केंस वळोवंक लागलें. केंस वळोवन जातकीर ताणे थंयचीं फुलां पुंजायलीं आनी माथ्यार माळ्ळीं. म्हजे केंसापरस सुर्याचे केंस कितलेतरी सुंदर. भांगराभशेन चकचकीत. म्हज्या फेर्नांदाचेय केंस सुर्यासारकेच भांगराचे आनी चकचकीत आशिल्ले. फेर्नांदाच्या उगडासान ताका रडूंक आयलें. दोळ्यांतलीं दुकां सोंपसर तें रडत बसलें.

बरीच रात जातकीर तें फुडली वाट चलपाक उबें रावलें. कांटेकुटे आनी फातर लागून ताच्या पांयाचे तळवे इतले दुखावल्ले कीं ताज्यान एक पावल लेगीत घालूं नज जालें. तें जमनीर बसलें आनी देंवतेवयल्यान कुल्यांचेर सरपटत सरपटत न्हंयेम्हऱ्यांत पावलें. उदकांत न्हातकीर ताका मातशें बरें दिसलें. न्हंयेदेगेर पानांचेर ते आड पडलें. रोकडीच ताका न्हीद पडली.

१५४८ साला पुर्तुगेज सैनिकांनी दिवाक केल्ल्या व्हड पराक्रमाच्यो खबरो आयकून सुखावलेलो पूण वांगडाच आपलो पराक्रमी पूत दों फेर्नांद द काश्त्रु हाका त्याच झुजांत आयिल्ल्या मर्णाची वायट खबर आयकून दुःखान पोखरिल्लो दों जुआंव द काश्त्रु विसेरेयचे पलासींतल्या आपल्या म्हालांत एकांतांत रडटालो. कदेलार बशिल्लो थंय ताच्या दुकांनी भरिल्ल्या दोळ्यांसामकार त्या लडायेंतलो एक भिरांकूळ प्रसंग उबो

वलो : ... दुस्मानांचेर उजो ओंकपी नाळी, भयांकृत मड्यांनी भरिल्ल्यो काळ्योकीट्ट वणटी आनी उजो लागून पेटिल्ले बुरूज हे फाटभुंयेचे चुकून खंयतरी काळसार जाल्ले सैनीक हातांत पेट्टी दिवटी घेवन तांबड्योगुंज जाल्ल्या नाळीलागसार दिसताले. मायले वटेन वणटींचे वयर चडपी सैनिकांकडेन अजापान पळेणारें लश्कर, उत्तरेक तळाकडेन रखरखीत रेंवेन भरिल्ल्यो वेळो आनी दक्षिणेक अंत नाशिल्लें दर्यांचें उदक.

एका प्रचंड स्फोटाच्या गडगडाटावांगडा उप्राशिल्ल्या उजाचे आनी धुंवराचे वावटळीत दिवाच्या आनी खंब्रायतच्या सैनिकांक दों फेर्नांद उंच मळबांत उडिल्लो दिसलो आनी दिसता म्हणसर नाच जालो.

एक पुर्तुगेज राष्ट्रध्वज वणटीवयल्या सगळ्यांत उंच सुवातेर फडकलो. एका व्हड जैनाच्या स्तोत्राच सुरांक दर्याचीं ल्हारां आनी वाळवंटांतलें वारें साथ करपाक लागलें...

विसेरेयन बोल्सांतलो लेंस काडून आपले दोळे पुसले. उपरात खयच्याय मनशान विसेरेयक केन्नाच रडटा आसतना पळेलोना.

"ह्या वणटीच्या दरेका चिऱ्याचें मोल म्हूण म्हगेलो एकेक पूत हांव खोशयेन दितलों आमलों." अशें नो आपलें सांत्वन करूंक आयिल्ल्याक सांगतालो.

न्हयेदगेर मांगऱ्याक सुस्त न्हीद पडिल्ली. पूण ताचे कानार पयशिल्ल्यान येवपी गोंगाट पडिल्ल्यान ताची न्हीद तुटली. रात बरीच जाल्ली. दर खिणाक तो आवाज मोठो जायत वतालो. न्हयदिकेन येवपी मनशाचो तो आवाज आसूंक जाय अशें ताणें येवजिलें.

सुमार साठएक वरां तें उपाशीं आशिल्लें. रानातल्यान केल्ल्या पायपिटीन ताका खूब अशक्तनाय आयिल्ली. तातूंत भर म्हूण ताजें आंगच जोरान खतखततालें. ताका लागून ताका दोळ्यांनी पळेनासतना लेगीत दिसूंक लागलें आनी कान दिवन आयकनासतना लेगीत आयकूंक येवंक लागलें. एक प्रकारची गुंगी आयिल्लेवरी ताच्यो सगळ्यो क्रिया यंत्रामाशेन आपशींच जाताल्यो. सैमाच्या वा मनशाच्या स्थितीत जायत राविल्ल्या बदलांची ताचेर कसलोच परिणाम जायनाशिल्लो, ताज्यो भावनाय भेरेवन गेल्ल्यान ताजी मनस्थिती वस्तुस्थितीक स्वप्न मानताली आनी सपनांक सत्य मानताली आनी सपनांक सत्य मानताली. ताज्यो संवेदना जागृत आशिल्ल्यो पूण तांचेवयली गुंगी अजून ना जावंक नाशिल्ली. ताजो आत्मो निद्रीस्त आशिल्लो पूण सपनांच्या सृष्टींत वावुरतालो.

दोंगराच्या आडव्या तिडव्या रांगामदल्यान हालत्या दिव्या मशालींचो उजवाड दिसपाक लागलो. जसो जसो हो उजवाड न्हंयेलागीं पावत गेलो तशी तशी दिव्यामशालींची संख्या वाडत रावली. दशकांनी, शेंकड्यांनी, हजारांनी दिवे मशाली वांकड्या तिकड्या

वाटांनी न्हंयेदेगेर देंवपाक लागल्यो. न्हंयेपलतडी हीं सगळीं मनशां एका लाकडाच्या राशिसामकार वेंटाळो घालून उबीं रावलीं. तांतूंत दादले आशिल्ले आनी बायलोय आशिल्ल्यो. कोणाचे तरी मडें दहन करपाखातीर हो लोक थंय एकठांय जाल्लो. निसणीर घाल्लें मडें थंय पावतकीर खांदो देणाऱ्या मनशांनी तें थंय मांडिल्ल्या लांकडाच्या राशीवयर दवरलें. मंत्र म्हणून जातकीर भटांनी चितेचेर गाडग्यांनी तेल तूप रकयलें. उपरांत थंय जमिल्ल्या लोकांनी कुशीक सरून एके सुंदर आनी दागदागिन्यांनी शिंगारिल्ले बायलेक चितेम्हऱ्यान येवपाक वाट तयार केली.

ते बायलेचे नदर पडनाफुडें मोगरें आकांतान उबें रावलें. तेचबरोबर ताच्या तोंडातल्यान एकच उतर भायर फुटलें : 'सती'! पलतडी कितें चललां तें ताका आतां होलमलें आनी ताज्या आंगार शिरशिरी आयली.

सरणालागीं पावतकीर ते बायलेन आपल्या आंगावये दागिने काडले आनी आपल्या सोयऱ्यां आनी इश्टिणींमदीं वांटले. इतले म्हणसर भटांनी चितेक उजो पेटोवपाक सुरवात केली. सरण पेटूंक लागनाफुडें ते बायलेन थीर पावलांनी चितेक प्रदक्षणा घालपाक आरंब केलो.

मोगऱ्याचें काळीज धडधडूंक लागलें. चारपांच प्रदक्षणा घालून जातकीर सुरवेक नेटान पडणारीं सतीचीं पावलां डळमळूंक लागलीं. सोयऱ्यांच्या हातांच्या आदारान तिणें चितेर चडपाचो यत्न केलो. पूण भयान आंग काडून ती फाटीं सरूंक लागली. मोगऱ्यान आपले हात तिजे दिकेन फुडें केले आनी सुजिल्ल्या तांबड्या दोळ्यांनी तिजेकडेन पळेत तें व्हडल्यान आड्डलें : "पळ! जीव वाटाय!" पूण ताजो आवाज पलतडच्या गोंगाटांत आनी तेन्नाच सुरू जाल्ल्या वाद्यांच्या गजरांत विरून गेलो.

ते बायलेक चितेर चडपाक जमना हें पळेनाफुडें कांय दादल्यांनी तिका हातांनी उबारली आनी उजांत धुकलून उडयली. उजांत पडनाफुडें तिणें उज्यांतल्यान भायर उडी मारपाक सोदलें. पूण पेटत्या उजांत ती भितर भितर वचूंक लागली. तांबड्याहडव्या ज्वाळांनी तिका चोयवटेन वेंटाळो घालो. जिवाच्या आक्रंतान तिणे मारिल्ल्या किंळच्यांमुखार जमिल्ल्या लोकांचें आड्डप आनी वाद्यांचो गजर लेगीत फिके पडले.

मोगऱ्याचे पांय कडकडूंक लागले. ताणें थंयच जमनीर बसकण मारली. ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकांची गंगा व्हांवत राविल्ली. चितेचो उजो मंदावनाफुडें मसंडेंतलो सगळो बोवाळ थांबलो. थंयच्या शांततेचो भंग केलो. "म्हजे भयणी, तूं खऱ्यांनीच सुखी!" ह्या मोगऱ्याच्या तोंडांतल्यान भायर सरिल्ल्या उतरांनी.

मागीर तें थंयचें उठलें आनी मंद पावलां घालीत चलूंक लागलें. आतां ताका कसलोच भय दिसनाशिल्लो. कसलीच यातना भोगनाशिल्ली. आपूण खंय वतां हें

लेगीत ताका खबर नाशिल्लें. रानांतल्यान ताजो हो दिशाहीन प्रवास चालूच रावलो.

(१३)

इंदियेंत पावसाळो सोंपलो तरी गडगडाट फाटल्यान उरता. संवसारांत सगळेचकडेन सैमाचे तरेतरेचे आविश्कार चडउण्या प्रमाणांत नदरेक पडटात. पूण उदेंतेकडल्या वाठारांनी तांची तीव्रताय हिसपाभायर चड आसता. हांगचेपरस व्हड गडगडाट, व्हड वादळांमोडां, व्हड पूरबुडट्यो आनी चड कडक दुकळ हेरकडेन दिश्टी पडना.

दुसरे रातीं दक्षिणेकडल्यान उबत आयिल्ल्या काळ्या काळ्या कुपांनी अकस्मात मळब भरून गेलें. दिसभर काम केल्ल्यान पुरो जाल्लो नाणूस गावचो लोक आपल्या खोपीभायल्यान उगड्यार न्हिदिल्लो. तांकां सावदांचो भय दिसनाशिल्लो आनी फातोडेर पडपी दंवाचीय पर्वा नाशिल्ली.

अकस्मात मळबांत व्हडलो गडगडाट जालो. आवरो उडून ते जागे जाले. मळबांत विजेचो चकचकाट आनी गडगडाट आनी पावसाचो भडिमार नेटान चालू आशिल्लो. पयशिल्ल्यान खंयच्यानरी अवाढव्य राक्षसान वाजयिल्ले प्रचंड पिल्लुकेचो सूर आयकूक आयलो. त्या आवाजान विजेन लेगीत आग काडिल्ल्यान तिजो चकचकाट थाबलो आनी सगळो वाठार उपाट काळखांत बुडून गेलो. पिल्लुकेचो आवाज लागीं पावता तसो सगळो वाठार नेटाच्या वाऱ्यान हालून गेलो. त्या वाठाराक चक्रीवादळान घेरिल्लो. एकाद्र्या प्रचंड राक्षसान हुमटून उडयिल्लेवरी लागसारच्या रानातले रूक हुमटून पडटाले. व्हडव्हड रुखांझाडांचे खांदे मोडून सकल पडटाले. रानांतल्या सावदांनी आपल्या घोंनींतल्यान एकाच वेळार आडुडुपाक आरब केलो. घडये ह्या प्रलयांतल्यान आपणाक वाटाय म्हूण तीं देवाक आळयतालीं जावयें.

नाणूस गांवाक नेंकून एक न्हंय व्हांवता. पावसा दिसांनी तिका खूब लोट आसता आनी नेटान व्हांवपी उदकाची खळखळ पावसाचो मोसमभर चालू आसता. गिमा दिसांनी न्हंय मंद गतीन व्हांवता, उदकाची खळखळ हयन्हयशी उरता पूण उदक मात सामकें नितळ आसता. न्हंयेचे दोनय देगांनी पाचवीचार रानां पातळ्ळ्यां आनी न्हंयेचें पात्र तरेतरेच्या रंगाच्या पाशाणी फातरावयल्यान आनी पाचव्या रंगाच्या शेळ्यावयल्यान मोळ्या कश्टान न्हंयदेगांनी पावता. पूण तितल्याच उजवाडान लेगीत न्हंयदेगेवयलीं फुलां आनी शेळ्याचो पांचवो गालिचो उठून दिसता.

हे न्हंयेचे उजवे देगेर देवी पार्वतीचें एक देवूळ आशिल्लें. त्या देवळांत ते वादळी रातीं दिवे पेटिल्ले आनी ह्या आकस्मीक संकटांतल्यान जीव वाटावपाखातीर थंय गांवच्या लोकांची रीग लागिल्ली.

देवळाच्या चोंयवटयां गांवचो हिंदू लोक आलाशिरो सोदपाक थंय धांवत येत

राविल्लो. संवसारांत सगळेकडेन निमाण्या वगतार मनशाक धर्म होच एकमेव आदार, आलाशिरो, शक्त आनी आशेचो दिवो आसा अशें दिसलेबगर रावना. नाणूस गांवचो हिंदू समाज त्या देवळांत ह्या प्राणसंकश्टावेळार एकठांय जाल्लो. योगायोगान वादळानय ह्याचवेळार आपली सगळी शक्त देवळाभोंवतणी केंद्रीत केल्ली. मळबांतलीं व्हडव्हड आनी काळींकाळीं कुपां देवळाच्या घुडाभोंवतणी चक्रांत सांपडिल्लेवरी घुंवत राविल्लीं. देवळाचो घुमट पावसा उदकाच्या झोडीन उसवता आनी उदकाक पाझरपाक वाट करून दिता काय दिसतालें.

झाडारुखांच्यो खांदयो आनी पानां वेगान हालतालीं. एकाद्रो प्रचंड आनी अदृश्य हात झाडांक मुळांसयत हुमटावन सगळें रानच नश्ट करूंक सोदता काय दिसतालें. देवळावयर वाऱ्याचो सुस्कार मोठ्यान जायत राविल्लो. एकामेकांकडेन झगडटना दोन अवाढव्य राक्षस जशे सुस्कारे सोडीत रावतात तसो हो सुस्कार आशिल्लो. पूण देवळांत मात शुध्द हवा घोळनाशिल्लेवरी लोक घुस्मटताले. पावस इतल्या नेटान पड आनी वारो इतल्या वेगान व्हांव की पावसांतल्यान धांवणारो मनीस निसरून पडल्यार उदकाच्या लोटांतल्यान व्हांवूनच वचपाचो. कोणाच्याय हाताचो आदार लाबल्यारच ताजो जीव वांचपाचो.

वादळाच्या वेगावांगडा देवळांतल्या मनशांचो भय आनी बोबाट वाडत वतलो. जेन्ना सोसाट्याच्या वाऱ्याक लागून देवळांतले दिवे पालवतले तेन्ना तर शेंकड्यांनी मनशां मर्णान आपल्या काळ्या हातांनी तांका आंवुळ्ळेवरी एका बरोबर किंळच्यो हुयेली मारीत रावतालीं.

हो संवसार आतां नश्ट जाता अशें दिशिल्ले वेळार मळबांत विजेचें तांडवनृत्य द्रूत गतींत चलिल्ले वेळार, पावसाच्या व्हडव्हड दडकांनी दोंगरांक धुवन काडिल्ले वेळार, व्हडांतल्या व्हड वादळान आपली गती मातशी उणी केल्ले वेळार देवळाकडेन धांवत येवपी एक बायलेचो आवाज आयकूंक आयलो : वांचयात! म्हाका वांचयांत !

कांय खिणांभितर विद्रूप, अस्ताव्यस्त, रक्तबंबाळ आनी आंगांत जोर चडिल्ल्यान कडंकडणारें मोगरें आपले हात फुडें करीत देवळा दारांत पावलें. थंय पावनाफुडें ताणें परत एक फावट म्हळें : "वांचयात! म्हाका वांचयात!"

देवळांतल्या मनशांनी आंग काडलें आनी व्हडल्यान किळंच मारली : "मोगरे!" तेच खिणांत देवळाचें दार घडूड करून बंद जालें आनी देवळांतले दिवे पालवले. आनी मोगऱ्याच्या नांवान गाळीशिरापांचो शिंवर सुरू जालो. देवळांची दारां धडूड करून धांकनाफुडें मोगऱ्याक आपणाक देवाचीं आनी समाजाचीं दारां कायमचीं बंद जाल्यांत हाची जाण आयली.

लागसारच न्हंयेपलतडच्यान घांटीचो आवाज आयकूंक येवंक लागलो. न्हंयेपलतडचे इगर्जेची घांट आपल्या तालान वाजणाऱ्या नादान किरिस्तांवांक प्रार्थनेचो वेळ जाला हें सुचीत करताली. घांटीचो आवाज आयकनाफुडें मोगऱ्याक तें देवूळ आनी इगर्ज हांचेमदल्यान व्हांवपी न्हयेचो उगडास आयलो. मनशांनी जरी आपणाक पयस लोटलें तरी विशाल काळीज आशिल्ली न्हंय आपणाक आपल्या उदकांत आसरो दिलेबगर रावचीना अशें येवजून तें न्हंयेदिकेन वचपाक लागलें.

मुसळधार पावसाक लागून न्हंयेक हुंवार येवन उदकान दोनय देगो हुंपिल्ल्यो. धोंपरभर उदकांत पावतकीर मोगऱ्याच्या तोंडांतल्यान उतरां फुटलीं :

"देवानच म्हाका हांगा धाडलां!"

हीं उतरां एका जाण्टेल्या मनशान उच्चारिल्लीं. मोगरें खोल उदकांत पावपाक आयलां हें ताका वाचोवपाक तो ताकतिकेन ताचे फाटल्यान धांवत पाविल्लो. ताच्या हातांचो आदार मेळनाफुडें मोगऱ्याक घुंवळ आयली.

त्या मनशान मोगऱ्याक जमनीवटेन उबारून व्हेलें. ताका जमनीर दवरून ताणें म्हऱ्यांन दिमी मार्ली. ताची नकली आपल्या हड्यार तेंकयली आनी देवाचें नांव घेवन तो देवाचे उपकार आठोवंक लागलो. ताचे प्रार्थनेंत दों फेर्नांद द काश्त्राचें नांवय दोन तीनदां आयलें.

मर्णाचो मोद घेन हेडत गविल्ल्या त्या नाजूक चलयेच्या नशिबांतली रानांतली ती निमाणी रात आशिल्ली.

एकाद्र्या जादूगारान जादू केल्लेवरी मळबांतलीं कुपां नाच जालीं आनी निळें निळें मळब दिसूंक लागलें.

(१४)

देवी पार्वतीच्या देवळासावन सुमार आठशेंएक पावलांच्या अंतराचेर पाद्रि फ्रांसिश्क शावियेरान एक ल्हानशें कपेल बांदिल्लें. काळ्यातांबड्या खडपांमदीं तें धवें कपेल उठून दिसतालें. त्या कपेलांतले घांटीचो आवाज मोगऱ्याक तें देवळाभायर जमनीर पडिल्लें आसतना आयकूंक आयिल्लो.

मोगऱ्याचें तोंड पुसता आसतना पाद्रि फ्रांसिश्क शावियेर ताका परत परत विचारतालो : "तुका आयकूंक येता? किरिस्तांव धर्माची भूतदया तुका आपणालागीं आपयता. तुगेल्या निश्ठूर समाजान उचांबळावन घाल्ल्या ह्या दर्यांत तुका हेंच एक खात्रीचें आनी सुरक्षीत बंदर. म्हजो देव तुजी वाट पळेता. जांचीं तारवां फुटल्यांं अशा सगळ्यांक तारणारो तो देव."

मोगरें अजून बेशुद्धच आशिल्लें. ताका जाता तितले बेगीन थंयचें हालोवप गरजेचें

आशिल्लें. पाद्रि फ्रांसिश्कान ताका आपल्या हातांचेर आडवें उबारलें आनी ल्हवूल्हवू चलत तो न्हंयेदेगेर पावलो. एक लांकडी सांवक हुंपून जातकीर तो पलतडी कपेला सामकार पावलो.

पाद्रि फ्रांसिश्क शावियेर आतां जाणटो जाल्लो. ताची भलायकीय बरी नासताली. आपल्या धर्माचो ताका अभिमान आशिल्लो. ताणें केल्ल्या त्यागाचें फळ ताका लाबिल्लें. दुर्बळांक आनी पिडिल्ल्यांक आदार दिवपी म्हूण ताची नामना जाल्ली. देवान आपणाक दुर्बळांक आदार दिवपाची आनी एक संद दिली म्हूण ताणें देवाचे उपकार आठयले. आपल्या भुरग्यांक आनी एक भयण आनी आपल्या देवाक आनी एक आत्मो मेळोवन दिवपाचें भाग्य आपणाक लाबलें म्हूण ताणें देवाचे आभार मानले.

कपेलाची घांट वाजत आशिल्ली. तीं दोगांय कपेला दारांत पावलीं. भितर उजवाड आनी उमेद पातळिल्ली. कपेलांत भितर सरनाफुडें ताणें मोगऱ्याक अचळय जमनीर न्हिदयलें. उपरांत लागसारकच दिमी मारून ताणें आपल्या शांत आनी गंभीर आवाजांत आज्ञा केली :

– प्रार्थना म्हणात!

थंय जमिल्ल्या लोकांमदीं एक खोशयेचें ल्हार फुटलें आनी सगळ्यांनी एका बरोबर एका आवाजांत म्हळें :

– जो कोण देवाच्या नांवान येता, तो भाग्यवान.

कपेलांतले भावीक प्रार्थना सुरांत गायताले. एका ल्हानशा ऑर्गनाची साथ लाबिल्ल्यान तें संगीत कानाक गोड लागतालें. मोगऱ्याक हळुहळू सुद्द येवपाक लागली. सुद्द येतायेता तितलें ताचें आंगय थरथरूंक लागलें. मर्णा उपरांत आपूण चुकून सर्गार बी पावलां जावये अशें येवजून ताका थरथरो आयिल्लो जावये.

हळुहळू ताका वस्तुस्थितीची जाण येवंक लागली. जाचे हात आपणाक मायेन थापटितात त्या मनशाचें तोंड पळेनाफुडें तें त्या संताक वळखलें. ताचें आंग आंखडलें. मोन्यांनी तें ताका दोळे हालयनासतना पळेत रावलें.

बऱ्याच वेळान ताणें ल्हवू आवाजांत विचारले :

– सिन्योर, हांव खंय आसा?

– देवाच्या घरांत.

– हांव हिंदू!

– तूं अभागीण, म्हजे धुवे.

– हांव शापीत!

– ह्या मोगाच्या, आशेच्या आनी भुतदयेच्या मंदिरांत तुका कोणच तशी मानचोना.

मोगरें रडूंक लागलें. कपेलांतले लोक गायताले –

– दुःख जांची सोडिना फाट

तांकांच पोशेता देवाचे हात.

दोन दिसांउपरांत पाद्रि फ्रांसिश्क शावियेर विसेरेयच्या पलासींत भितर सरलो. ही गजाल १५४८ सालांत घडिल्ली.

– सुस्वागतम्, पाद्रि. म्हाका तुमची याद येताली. आज हांव रडलों. म्हज्या बाबड्या फेर्नांदाक दों लौरेंस द आल्मैदाची सावळी मेळ्ळ्याच आसतली. स्वर्गांत त्या दोगांय देवदुतांक एकठां पळोवन खोस पातळ्ळ्या आसतली. जाणा पाद्री? फेर्नांदाचेर एक हिंदू चली मोग करताली अशें म्हज्या कानार आयलां.

– सिन्योर म्हजेकडेन तो तशें वदला आनी तिचो सांबाळ करपाचें काम ताणें म्हजेर सोंपयलां.

– व्वा! पाद्रि! व्वा! मोग्यांचो राखणदार! संकश्टाची वा समाजाची पर्वा करिनासतना एकामेकांक सांगात दिवपी धाडशी मोग्यांचो राखणदार!, विसेरेयन हांसत हांसत म्हळें.

– ह्या घरांत खुबशा काळाउपरांत खोशयेचो एक कीर्ण भितर सरलो ही खरीच बरी गजाल. देवाच्यो वाटो असंख्य आसात आनी त्यो ताका एकट्याकच कळटात. देव जेन्ना मनशाक सत्याची वाट दाखोवंक सोदता तेन्ना तो होरेबांतलीं जंगलां पेटयता वा मागुशांच्या नक्षत्राक मेकळें सोडटा.

– तुमचीं ही उतरां म्हळ्यार भांगराचीं उतरां. आमी मोग्यांच्या वाटासंबंदींच उलोवयां. तुमी जिचो सांबाळ पत्करलो ते चलयेचें कितें जालां?

– आपल्या नवऱ्याक मेळूंक, वचपाच्या तयारेक तें लागलां. तांच्या मिलनाआड येवपी सगळे दोंगर–पर्वत आतां भुंयेसपाट जाल्ल्यान तांची भेट आतां जंय फकत देव आसा पूण धर्म ना अशा पवित्र वाठारांत जातली.

– कितें सांगतात, पाद्रि फ्रांसिश्क शावियेर? एकाद्रो नवो चमत्कार बी जावपाचो आसा?

– आयच्यान एका म्हयन्या उपरांत विसेरेयचे पांय नाणूस गांवांत आशिल्ल्या म्हज्या ल्हानशा आश्रमाक लागत अशी आशा म्हज्यान बाळगू येत काय?

– अवश्य! हांव थंय येतलोंच. म्हजेवांगडा क्रिस्ताची खुरिसय घेवन येतलों. त्याच वेळार, गोरगरिबांक, त्राशिल्ल्या – पिडिल्ल्यांक जो तुमी आदार दितात त्या तुमच्या निस्वार्थी कार्याचो हांव फावो तसो सत्कारय केलेबगर रावचोना.

दोगांयनी एकामेकांक वेंग मारली. दोगांयच्या दोळ्यांनी दुकां व्हांवतालीं पूण तोंडा हांशान भरिल्लीं.

एका म्हयन्याउपरांत नाणूस गांवातल्या कपेलांत दों फेर्नांदाच्या सुंदर व्हंकलेचो बातीज्म जालो. खाशा ताणेंच निवडून काडिल्लें. 'मारीय द दोरिश' हें नांव थंय ताका दवरलें. ताचो पाद्रिन्य आसलो दों जुआंव द काश्त्र आनी माद्रिन्य आसली सायबीणमांय.

समारंभाक जमिल्ल्या सगळ्या लोकांच्या दोळ्यांनी दुकां व्हांवतालीं. समारंभाच्या शेवटाक त्या नव्या किरिस्तांव चलयेन आपल्या पाद्रिन्याच्या उजव्या हाताचो उमो घेतलो. आपल्या मोट्या आनी दु:खान भरिल्ल्या दोळ्यांनी ताका पळेत उलो माल्लो : बाबा!

दों जुआंव द काश्त्रान ताका वेंगांत घेतलें, थापटिलें आनी सगळ्यांक आयकूंक येता इतल्या मोट्यान म्हळें :

– हय, म्हजे मोगाळ धुवे, हय! स्वर्गांत तुमी दोगांय एकठांय जातलीं.

कपेलात जमिल्लो लोक आनी पाद्री गायतालें :

"देवा तुजें गायतां स्तवन... "

हे गजालीक वर्सभर जालें. ह्या काळांत मोगऱ्याच्या आवयबापायक तांचो कसलोच अपराध नासतना नाना तरेच्यो यातना भोगच्यो पडलो. गांवच्या हिंदू समाजान तांचेर बहिश्कार घाल्लो. तांकां वाळींत उडयल्लें. वर्सभर तांणी मोन्यांनी ह्यो यातना भोगल्यो. मागीर तांचो धीर सुटलो. ह्या एकमुळ्या, एकसुऱ्या जिविताचो वीट येवन तांणी किरिस्तांव धर्माचो स्विकार केलो.

मोगऱ्याचे अपवित्र पांय देवी पार्वतीच्या देवळाच्या हुमऱ्याक लागिल्ले म्हूण गांवच्या हिंदूंनी त्या देवळांत येवपाचेंच सोडून दिलें. कांय वर्सांनी ते सुवातेर देवळाच्या अवशेशांचेर एक इगर्ज उबी जाली.

बातिज्म जातकीर म्हयन्या उपरांत मोगरें मर्ण पावलें. दों फेर्नांदाक मेळपाक स्वर्गांत गेलें. मरचे वगतार ताचे म्हऱ्यांत पाद्रि फ्रांसिश्क शावियेर आशिल्लो. ताचे तोंडांतल्यान हीं निमाणीं उतरां भायर फुटलीं : "हांव धवीं वस्त्रां नेसलां आनी म्हाका म्हज्या नवऱ्याचो उगडास येता. पाद्रिबाब , देव तुजें बरें करूं!"

● ● ●

Celebrating 50 Years
1957-2007

VISION
GROWTH
DYNAMISM
FOMENTO
ENTERPRISE
INNOVATION
RESPONSIBILITY

SOCIEDADE DE FOMENTO INDUSTRIAL PVT. LTD.

Geology, Mining, Mineral Dressing, Transportation & Exports of Mineral Ores

Vila Flores da Silva, Erasmo Carvalho Street
Margao, Goa 403 601, India
Tel : +91 - 832 - 2732346 **Fax :** +91 - 832 - 2730651
Email : fomento@fomento.com
Visit us at : www.fomento.com